सुनापरान्त
केणीबाब
स. चंद्रकांत केणी हांच्या
75व्या जल्मदिसा निमतान...

Mining in Environment Friendly Manner

Jatropa plantation on the dumps

Jute blanket for dump erosion control

Nurturing, stabilising and protecting environment ... The work goes on ...

ISO 9001:2000 & ISO 14001:2004 COMPANY

Meeting the International Standards for Quality Management & Environment Management Systems in

- MINING
- PROCESSING
- TRANSPORTATION
- EXPORT OF IRON ORE

IRQS
A DEPARTMENT OF INDIAN REGISTER OF SHIPPING

MGMT. SYS. RvA C 375
DUTCH ACCREDITATION COUNCIL RvA

ISO 9001:2000 & ISO 14001:2004
APPROVED BY IRQS

SALGAOCAR

V. M. Salgaocar & Bro. Pvt. Ltd.

Salgaocar House, Off Dr. Francisco Luis Gomes Rd.,
Vasco-da-Gama, Goa - 403 802
Tel.: (0832) 2512111-14, 2513241-43, 2512962
Fax : (0832) 2513813 Email : vmsbgoa@vmsalgaocar.com
Website : www.vmsalgaocar.com

State Bank of India
With you - all the way
Pure Banking. Nothing else.

Relax...
SBI Easy Home Loan is here.

SBI CAR LOAN
WALK IN. DRIVE OUT

LOANS TO DESERVING, MERITORIOUS STUDENTS FOR FULL TIME COURSE IN INDIA AT SELECT PREMIER AND REPUTED INSTITUTES

Contact your nearest SBI Branch
Goa University Complex Branch
(Code No. 4311)
P.O. Goa University
Taleigao (Goa) 403 206
Tel: 2451241 Fax: 2456223
Email: sbi.04311@sbi.co.in

Zonal Office
St. Inez, Panaji
Tel: 2226091/92/93/94

सांस्कृतीक एकचाराचे पूल बांदपी चंद्रकांतबाब केणी

कोंकणी साहित्याच्या मळार एक समर्थ पत्रकार, कथाकार, कादंबरीकार आनी लळीत निबंदकार म्हूण तांणी नामना जोडल्या. पूण कोंकणी चळवळीचे उदरगतीक तांणी दिल्लें सगल्यांत व्हडलें योगदान म्हणल्यार तांणी केल्लो 'पूल बांदपाचो' वावर. कोंकणी आनी मराठीक एकठांय नंदवपाचो वावर तांणी राष्ट्रमता वरवीं सुरू केल्लो. मंगेश पाडगांवकर, नरेश मंत्री, मंगेश राजाध्यक्ष अशा ज्येश्ठ मराठी साहित्यकारांक ते खूब लागीं आशिल्ले. तांणी भाशीक मळाचेर बांदिल्लो कोंकणी-मराठी पूल नसत्या वादांत घुस्पून रावतल्यां खातीर देखदिणो थारला.

दामोदर मावजो

मराठींतल्या नामनेच्या कवींमदीं बाकीबाब आनी कथाकारां मदीं लक्ष्मणराव हांचो आसपाव जाता. ह्या दोगांकूय मराठी वाचकांनी माथ्यार घेतले. ह्या दोगंनीय मराठीचो मोग केलो आनी सुमारा भायर सेवा केली. पूण अशें करतना आपूण कोंकणी हें ते विसरले नात. त्या काळार आपणाक मराठी बरी येता म्हूण मराठीचो पाखो घेवन कोंकणीक फाट करपांत धन्यताय मानपी खूब गोंयकार आशिल्ले. मराठीचें राजकारण करतल्या महाराष्ट्री आनी गोंयच्याय फुडाऱ्यांक तें पथ्यार पडटालें. ताका लागून तांचो थातोमातोय जातालो. कोंकणी खातीर कसवटेचो असो आशिल्ल्या त्या काळार चंद्रकांत केणी नांवाचो एक तरणाटो लेखक मराठींत बरोवंक लागलो. मराठीवाद्यांक आस निर्माण जाली. पूण हो एके वेगळेच मुशींत तयार जाल्लो लेखक आशिल्लो. शणै गोंयबाब, बाकीबाब, लक्ष्मणराव हांचे कडसून स्फूर्त घेवन बरयतालो मराठींत पूण बाजू मांडटालो कोंकणीची. कोंकणीचो अभिमान बाळगुनूय मराठी भाशेचेरूय मोग करूंक ताका कळटालें. कोंकणी मनशान मराठी, कन्नड, मलयाळम, पुर्तुगेज आनी इंग्लिश ह्या भाशांची जी सेवा केल्या ताचो ताका अभिमान आशिल्लो. त्या भाशांचे सेवेक लागून आमची समाजीक नदर आनी आमचें सांस्कृतीक दायज गिरेस्त जावपाक पावलां देखून आमी ह्या भाशांची सेवा चालूच दवरूंक जाय अशें लेखपी चंद्रकांतबाबान कोंकणी सरस्पतीचें दालन साहित्यालंकारांनी भरता आसतनाच मराठीचीय सेवा केली. मराठींतले तांचे लळीत निबंद म्हणल्यार उत्कृश्ट मराठी लळीत साहित्याचो नमुनो. तांचे हे मराठीचे सेवेची दखल मराठी साहित्याच्या धुरिणांनी घेतली ना ही दुर्दैवाची गजाल.

कोंकणी साहित्याच्या मळार एक समर्थ पत्रकार, कथाकार, कादंबरीकार आनी लळीत निबंदकार म्हूण तांणी नामना जोडल्या. पूण कोंकणी चळवळीचे उदरगतीक तांणी दिल्लें सगल्यांत व्हडलें योगदान म्हणल्यार तांणी केल्लो 'पूल बांदपाचो' वावर. कोंकणी आनी मराठीक एकठांय नंदवपाचो वावर तांणी राष्ट्रमता वरवीं सुरू केल्लो. मंगेश पाडगांवकर, नरेश मंत्री, मंगेश राजाध्यक्ष अशा ज्येश्ठ मराठी साहित्यकारांक ते खूब लागीं आशिल्ले. तांणी भाशीक मळाचेर बांदिल्लो कोंकणी-मराठी पूल नसत्या वादांत घुस्पून रावतल्यां खातीर देखदिणो थारला.

गोंय -मंगळूर पूल

काळी न्हंयेचेर पूल जावचे पयलींच गोंय आनी मंगळूर मदीं संस्कृतीक पूल बांदपाचो वावर सुरू जाल्लो. मंगळूरांत कोंकणी लोक व्हडा संख्येन रावता हें सगलेच जाणा आसले. पूण ह्या लोकांक संस्कृतीक नदरेन लागीं ओडपाचो

विचार पयलीं उप्रासलो तो चंद्रकांतबाबांचे तकलेंत.

पर्तगाळीच्या मठा कडेन आनी स्वाम्या कडेन लागशिल्लो संबंद आशिल्ल्यान मठांत येवपी दक्षिण कन्नड जिल्ल्यांतल्या कोंकणी भाशिकां कडेन तांचो पयलीं संबंद आयलो. हो कोंकणी मनीस आस्पतीन आनी दानतीन बरो हें केणीबाबान पळयलें. तांचे कडेन संवकळ वाडयली आनी गोंयां कडेन ताचे आशिल्ले इतिहासीक संबंद घटमूट करपा खातीर तांणी कोंकणीचे उदरगतीकूय हातभार लावचो म्हूण तांकां प्रवृत्त केले.

मंगळूर शाराक भेट दिवन तांणी नियाळ घेतलो. थंयचो हिंदू कोंकणी समाज आनी क्रिस्तांव कोंकणी समाज एकामेकां पासून पयस आसात तें पळोवन त्या लोकांमदीं सांकव बांदपाचेंय काम तांणी हातांत घेतलें. ह्या तांच्या वावराची फलश्रुती म्हणल्यार 1976 वर्सा मंगळूर शारांत भरिल्लें अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें इकरावें अधिवेशन. चंद्रकांतबाब ह्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष आशिल्ले. माटवांत हजारांनी संख्येन आशिल्ल्या लोकांमदीं गोंयकार-मंगळूरकार आनी मंगळूरांतले हिंदू तशे क्रिस्तांव हजारांचे संख्येन हाजीर आशिल्ले. हें चित्र त्या शारांत नवें आशिल्लें. हिंदू-क्रिस्तांव एकठांय येवपाची मंगळूराच्या इतिहासांतली ही पयलीच खेप. आनी हाचें स्रय फावता फकत चंद्रकांतबाबांक.

हीच गजाल कोची मेरेनच्या कोंकणी मनशाची. अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेचे सत्ते खाला मुंबय सावन कोची मेरेन पातळिल्ल्या समेस्त कोंकणी जनांक एका सुतांत गुंथून 'आमी सगले एक' ही जाणविकाय दिवपाचो मोलाचो वावर सुरू केलो तो चंद्रकांतबाबान. आयज हो वावर खूब मुखार पावला. चाफ्रा, मेल्वीन, एडवीन हे आमचेच लेखक अशें सगले मानतात. भास्कर आनी शरदचंद्र शणै हेय आमचेच जाल्यात. ह्या सांस्कृतीक एकचाराचें मुळावण केणीबाबान घाल्लें हें आमी विसरूंक फावोना.

सांकव आनी पूल

केणीबाबान आनिकूय ल्हान व्हड सांकव आनी पूल बांदल्यात. तांचो शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक मळार वावुरपी अनेक संस्थां कडेन लागशिल्लो संबंद आशिल्लो. हातूंतल्या चडश्या संस्थांचे जाळवणदार फाटले परंपरेक धरून मराठीवादी आशिल्ले. ह्या लोकांचें मतपरिवर्तन करपाचो वावर चंद्रकांतबाबान केलो. थोड्यांचो मराठी कडलो ओडो उणो जालो ना पूण कोंकणी कडेन पळोवपाचो आकस गेलो हें म्हत्वाचें. एम्. एस्. प्रभू हे एका वेळा वयले कोंकणीचे विरोधक. पूण उपरांत ते कोंकणीचे समर्थक जाले. मडगांवांत कोंकणी भवन उबें जालें. ताचे फाटली प्रेरणा मोनू परोब हांची आसली हें जितलें खरें तितलेंच मोनू परबूक कोंकणीच्या दाव्याक बांदपांत चंद्रकांतबाबाचो हात आसलो हेंय खरें.

देव वा देवळां कडेन केणीबाबांचो व्हडलोसो संबंद आयलो ना. पूण मठ आनी मठाधीश हांचे कडेन मात ते खूब लागीं आशिल्ले. पर्तगाळच्या मठाचे अनुयायी चडशे मराठीवादी. पूण केणीबाबांनी थंयूय क्रांती घडोवन हाडली. स्वाम्याक पयलीं पटोवन दिलें आनी स्वाम्यामार्फतीन मागीर अनुयायां मेरेन कोंकणीचो संदेश पावयलो.

लिपयां मदलो पूल

विंगड विंगड लिपयांनी वांटून गेल्ल्यान भाशेचे उदरगतीक आडखळ येता हें वळखून तांणी पयलीं 'साहित्य' नांवाचें नेमाळें सुरू केलें. अ.भा. कों. साहित्य परिशदेचे मार्फतीन सुरू केल्ल्या ह्या नेमाळ्यांत मलयाळम आनी कन्नड लिपयेंतलें बरें साहित्य देवनागरींत हाडपाचो वावर हातांत घेतलो. ताका लागून मंगळूराच्या साहित्याची पत आनी वळख गोंयच्या कोंकणी वाचकाक कळूंक पावली. पूण ह्या पुला वयलो हो वन वे ट्रॅफीक जालो. मंगळूरकारांनी देवनागरी शिकून घेवन मुखेल प्रवाहांत सामील जावचें हो हेतू फावो त्या प्रमाणांत सुफळ जालो ना. तरी कोचीच्या कोंकणी जनांनी देवनागरी पुरायेन आपणायली हेंय खूब जालें.

इतल्या उसरां नागरी शिकून नागरींतल्यान साहित्य रचतासर देवनागरीवाले खूब फुडें पाविल्ले आसतले अशी भिरांत रोमी आनी कन्नड लिपयेंत बरोवप्यां मदीं आशिल्ल्यान कोंकणीची साहित्यीक चळवळ तीन पोडांनी समांतर वता अशें चित्र निर्माण जालें. अशा वेळार चंद्रकांतबाबान दृकश्राव्य माध्यमाचो आगरो धरलो. हो विचार क्रांतीकारी आशिल्लो. 1976 वर्सा परिशदेच्या अध्यक्षपदा वयल्यान तांणी हो उलो मारिल्लो. बरपावळी वांगडाच ह्या आयकून पळोवपाच्या नव्या माध्यमाचो उपेग करून बरें साहित्य- कथा, कविता, नाटकां चडांत चड कोंकणी श्रोत्या मेरेन पावोवपाची गरज तांणी उक्तायिल्ली. लळीत साहित्या बराबरच धर्मीक प्रवचनां, किर्तनां, पुराणां, तुळशीचें लग्न, गणपतीची पुजा हेंय साहित्य भाविकांक उपलब्ध करून दिवचें अशें ते म्हणटाले. तांचो हो विचार आयज फुडें वता. पूण जितल्या नेटान तो मुखार वचूंक फावो आसलो तितलो वचना हें खरें.

चंद्रकांतबाबांक अभिप्रेत आशिल्लो हो पूल फकत लिपयां मदलो नासलो. आयची तरणी पिळगी आवयभाशे पसून पयस वता हाचो तांकां हुस्को आशिल्लो. जाण्ट्यांचें साहित्य तरणे पिळगे मेरेन टीव्ही, कॅसेटी ह्या आधुनीक साधनां वरवीं पावलें जाल्यार तांच्यांतल्या साहित्यीक गुणांक पसवण मेळटली अशी आस्त तांकां दिसताली. हाचोच अर्थ - आधुनीक साधनां वरवीं जाण्टे आनी तरणे पिळगे मदीं पूल बांदपाचो हो विचार. तसोच गोंयची तरणी पिळगी आनी शिंपडून आशिल्लो तरणो कोंकणी समाज हांचे मदीं पूल जावचो हीय तांची भावना आसली.

संघटक

संस्कृतीक पूल बांदपाची कुशळटाय जाच्या आंगांत आसता तो बरो संघटक जावंक पावता. चंद्रकांतबाबालें संघटन कौशल्य तांच्या पावला कणकणी जाणवतालें. कोंकणी भाशा मंडळ टामटीम चलतालें तेन्ना केणीबाबान मंडळाच्या अध्यक्षपदाची धुरा आपणाल्या खांद्यार घेतली. दोन वर्सां भितर कोंकणी भाशा मंडळ चैतन्यान भरून गेलें.

कोंकणी खातीर अकादेमी आसची हो विचार केणीबाबांनी 1976 वर्सा परिशदेच्या वेळार मांडिल्लो. कोंकणीचो वावर हेर भारतीय भाशांचे तुळनेंत फाटीं उरूंक फावना, ते खातीर पेंगट बांदून अश्टतासांचो वावर जावंक जाय आनी ते खातीर स्वतंत्र कोंकणी अकादेमी जाय हो विचार केणीबाबान मांडिल्लो. उपरांत भाऊ काकोडकारांनी घेतिल्ल्या फुडाकाराक लागून तो जैतिवंत जालो हें खरें आसलें तरी मुळांत हो विचार केणीबाबांनी उच्चारिल्लो हें लक्षांत दवरपा सारकें.

चंद्रकांतबाबां सारको दूरदिश्टी आशिल्लो फुडारी कोंकणीक मेळ्ळो देखून चळवळ समेस्त कोंकणी जनांक वांगडा घेवन फुडें वचूंक पावली. तिका गती दिवपाचो वावर आतां आमी फुडें व्हरूंक जाय.

कोंकणी चळवळीचो म्हालगडो

कोंकणी चळवळीक तांणी दिल्ल्या योगदानाचीं कांय तासां व्हडलींशीं उजवाडांत येवंक नात. केरळ आनी कर्नाटकांतल्या कोंकणी चळवळींतल्या कार्यकर्त्यां कडेन संधान बांदून उपरांत मंगळूरांत कोंकणी भाशा मंडळाचें मुळावण घालपांत तांणीच फुडाकार घेतिल्लो. गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळाक नवसंजीवनी दिवन तरणाट्यांच्या आदारान कार्यप्रवण करपाचें स्त्रयूय तांकांच फावता. तांचे अध्यक्षपदाचे कारकिर्दींतूच अ.भा. कोंकणी परिशदेची संस्था म्हूण नोंद जावन दोन वर्सांनी एक फावट अधिवेशन घेवपाची प्रथा सुरू जाली.

उदय भेंब्रे

चंद्रकांतबाब केणी ह्या मनशाचें एक खाशेलेपण म्हणल्यार ताची कल्पकताय. ताचे कल्पनेंतल्यो साबार गजाली साकार जावन आपली मोख गांठपाक शकल्यो हाचेंय स्त्रय ताका दिवपाक जाय. गोंयचे भौशीक जिणेंत पन्नास वर्सां परसूय चड काळ कार्यरत आशिल्ल्या ह्या मनशान गोंय आनी कोंकणी भाशे खातीर केल्ल्या वावराची तुळा करूं नजो. ताच्या निर्वाणान निर्माण जाल्ली पोकळी सोंपेपणी भरून येवची ना. मात ताचें जिवीत आनी वावर नव्या, तरण्या पिळग्यांक गोंयचें सांस्कृतीक दायज गिरेस्त करपाची तशेंच कोंकणीक परिपूर्ण भास करपाची प्रेरणा दीत रावतलें.

1956 वर्सा दिल्लींत 'गोवा इन्फॉर्मेशन सॅण्टर' उगडून चंद्रकांत केणी हांणी आपले भौशीक जिणेची सुरवात केली. केंद्रीय फुडारी आनी हेरांक गोंयची तशेंच गोंयचे स्वतंत्र अस्मितायेची वळख करून दिवपाचो वावर हे संस्थेन केलो. गोंय मुक्ती उपरांत गोंयांत येवन केणीबाबान 'त्रिवेणी' हें त्रिभाशीक पंद्रशी सुरू केलें. उपरांत 'राष्ट्रमत' आनी 'सुनापरान्त' ह्या दिसाळ्याचे संपादक म्हूण तांणी काम पळयलें. कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष म्हूण ते वावुरले. 1976 वर्सा मंगळूरांत जाल्ल्या अ.भा. कोंकणी परिशदेचेय ते येजमान आशिल्ले. गोमन्तक राष्ट्रभाशा विद्यापीठ, गोवा एडिटर्स गिल्ड ह्या संस्थांचे अध्यक्ष, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा हे संस्थेचे उपाध्यक्ष तशेंच साहित्य अकादमी, नॅशनल बुक ट्रस्ट आनी गोवा कोंकणी अकादेमीचे वांगडी म्हूण ते वावुरले.

कोंकणीचे साहित्यीक चळवळीचे एक मुखेली आशिल्ल्या केणीबाबाचीं 60 परस चड पुस्तकां उजवाडा आयल्यांत आनी तांची साबार माचयांचेर तोखणायूय जाल्या. तांच्या फुडाकारान आकाराक आयिल्ल्या 'कुळागर प्रकाशन' हे संस्थेन कितलींशींच पुस्तकां आनी नेमाळीं उजवाडायलीं. मुक्त गोंयच्या फुडारा कडेन आनी उदरगती कडेन (तशेंच कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृतायेचो) संबंद आशिल्ल्या दरेका उपक्रमांत ते वांटेकार जाले.

कोंकणी चळवळीक तांणी दिल्ल्या योगदानाचीं कांय तासां व्हडलींशीं उजवाडांत येवंक नात. केरळ आनी कर्नाटकांतल्या कोंकणी चळवळींतल्या कार्यकर्त्यां कडेन संधान बांदून उपरांत मंगळूरांत कोंकणी भाशा मंडळाचें मुळावण घालपांत तांणीच फुडाकार घेतिल्लो. गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळाक नवसंजीवनी दिवन तरणाट्यांच्या आदारान कार्यप्रवण करपाचें स्त्रयूय तांकांच फावता. तांचे अध्यक्षपदाचे कारकिर्दींतूच अ.भा. कोंकणी परिशदेची संस्था म्हूण नोंद जावन दोन वर्सांनी एक फावट अधिवेशन घेवपाची प्रथा सुरू जाली.

साबार मळांचेर पर्जळीत वावर करपी चंद्रकातबाब केणी हांणी पत्रकारिता

उदकाचो निमाणो थेंबो आसल्यार
ताचो तुमी कितले जतनायेन वापर करतले?

उदक जतनायेन वापरात!

पोरसां-बागो, मळे, शिंपचे खातीर फकत जाय तितलेंच उदक वापरात.

गरज नासतना उदक कश्याय कशें वारोवं नाकात. मतींत धरात उदकाचेर सगळ्यांचोच तितकोच अधिकार आसता. उदक सांठयतना आनीक एका दिसा खातीर इल्लें चडूच सांठयात. हें उदक तुमकां जेन्ना नळाक उदक नासतलें तेन्ना वापरूंक मेळटलें.

- नळ वापरले उपरांत रोखडोच बंद करात.
- नळांतल्यान गळटा तें उदक वा वाल्वातल्यान, टाकयेंतल्यान/पायपांतल्यान गळटलें उदक तात्काळ बंद करात.
- लोकांक उदकाची पुरवण करतल्या पायपांतल्यान जर उदकाक गळटी लागल्यार वा नळ फुटल्यार आनी कोणीय बेकायदेशीर रितीन वाटेवयल्या पायपांतल्यान उदक घेता अशें दिसल्यार तात्काळ आमकां सकयल दिल्ल्या फोनांचेर कळयात. (9422417233)

आदारा खातीर फोन नं. 2420069, 2430070 (सकाळीं 8.00 ते सांजे 8.00 मेरेन)

पणजी वाठार	वास्को वाठार	मडगांव वाठार	फोंडें वाठार	म्हापशें वाठार
222446	2512382	2714777	2312081	2262374

उदक वांचयात आनी जीण वांचयात!

कितें आयज तुमी तुमच्या वांट्याक आयिल्लें उदक वाचयलें?

लोक हिताखातीर वितरावणी
भौशीक बांदकाम खातें
गोंय सरकार

विदेशांत वता, वचा. पुण कायदयाचे पालन करून वचात. आनि सुखान रावात.

विदेशांत नोकरेखातीर वता ?

तुमी विदेशांत वचपाखातीरची मान्यता मेळेयल्या ?

फर्टीग एजन्सीच्या शब्दार विश्वास दवरुन केन्नाच विदेशांत वचूं नाकात.

खात्री पटवोन घेयात की, नोकरेखातीर भरती करपी एजंटान "प्रोटेक्टर जनरल ऑफ इमिग्रांटस"कडे नोंदणी केल्या आनी ताच्याकडेन कायदेशीर नोंदणी पत्र आसा.

नोकरेखातीर वता जाल्यार नोकरेखातीरचो कायदेशीर "वीसा" घेवूनच वचा. "विजिटविसा" चेर वचू नाकात.

खात्री करुन घेयात की तुमी ज्या देशांत नोकरेखातीर वता त्या देशातल्या भारतीय वकीलातीन तुमच्या "कामाच्या कंत्राटाक" मान्यता दिल्या.

मदतीखातीर मेळात

REUNITING GOANS

अनिवासी भारतीय कार्य आयुक्त खाते,
सचिवालय, पर्वरी-गोंय.

contact@globalgoans.org.in

महाबळेश्वर बोरकार, नारायण मावजो, बाबय वेरेंकार, उदय भेंब्रे, अनील पै हांचे वांगडा केणीबाब.

आनी साहित्याच्या मळार दिल्लें योगदान विसरपाक जावचें ना. 1963 वर्सा राष्ट्रमत दिसाळें सुरू करपाक तांणी फुडाकार घेतलो. ह्या दिसाळ्यान गोंय आनी कोंकणी भाशे खातीर केल्ल्या वावराक सर ना. त्या वेळार अशें कितेंय करप म्हळ्यार प्रवाहा आड पेंवपा सारकें आशिल्लें. मात गोंयचे वेगळे अस्मितायेची राखण करपाची आनी कोंकणीक तिचो मानाचो पाट दिवपाची गरज हिंदू समाजांतल्या कांय घटकांच्या मनाचेर ठसोवपाच्या कामांत राष्ट्रमताक येस आयलें. हाचो लाव 'ओपीनियन पोलांत' जालो. पुराय क्रिस्तांव समाज विलीनीकरणाक विरोध करतालो. पूण हो समाज अल्पसंख्य आशिल्लो. हिंदू समाजांतल्या एका वांट्यान विरोध केल्लो देखुनूच संघ प्रदेशाच्या समर्थकांचें ओपीनियन पोलांत जैत जालें. ताचें स्रय बऱ्याच प्रमाणांत राष्ट्रमताक वता. गोंयच्या इतिहासांतल्या ह्या म्हत्वाच्या कालखंडांत राष्ट्रमताचे संपादक म्हूण केणीबाब वावुरले. उपरांत 1987 वर्सा जेन्ना दत्तराज साळगांवकारान 'सुनापरान्त' दिसाळें सुरू केलें तेन्ना सभावीकपणान संपादकपद केणीबाबां कडेन आयलें.

संपादक म्हूण वावुरतना केणीबाबान तरणाटे प्रतिभेक सदांच उर्बा दिली. तांचें मार्गदर्शन आनी उर्बेची नमळायेन आनी कृतज्ञतायेन याद काडपी आयजूय साबार जाण आसात.

गद्य लेखनाचेर प्रभुत्व आशिल्लो कुशळ साहित्यीक म्हूण तांकां गोंय तशेंच गोंया भायलो लोक वळखता. पांच कथासंग्रह, स कादंबऱ्यो, कथिकांचे तीन संग्रह, भुरग्यां खातीर तीन पुस्तकां, तीन अणकार आनी हेर तरांच्या लेखनाचे स संग्रह ही तांची कोंकणींतली साहित्य संपदा. तांच्या 'व्हंकल पावणी' ह्या कथा झेल्याक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळो. तांणी मराठी आनी इंग्लिशींतल्यानूय लेखन केलें. तांच्या जिवितांत उजवाडा आयिल्लें निमाणें पुस्तक म्हणचे सारस्वतांचो तांणी बरयिल्लो इतिहास.

'त्रिवेणी' हें पंद्रशी गोंय मुक्ती उपरांत उजवाडावपी केणीबाबान गोंय आनी हांगाच्या हिंदू समाजा मुखार भाशेच्या मळार एक त्रिसुत्रीच दवरिल्ली. हांगा कोंकणी गोंयकारांची आवयभास आशिल्ली, मराठी हिंदू समाजान कांय क्षेत्रां खातीर आपणायिल्ली भास आशिल्ली तर हिंदी राष्ट्रभास. ही त्रिसुत्री जर हांगाच्या हिंदू समाजान आपणायिल्ली तर उपरांत बरीच वर्सां धुमसत राविल्लो भाशावाद उप्रासचो नाशिल्लो. तिनूय भाशांक कसल्याच अभिनिवेशा बगर योगदान दिवपी केणीबाबाक ही त्रिसुत्री मांडपाचो नैतिक अधिकार आशिल्लो.

आयज केणीबाब आमचे मर्दी नासले तरी तांचो वावर आनी तांचें साहित्य गोंयच्या फाटल्या पांच दसकांच्या समाजीक, सांस्कृतीक आनी राजकी इतिहासाचो वांटो जावन आमच्या सांगाता उरतलें हातूंत दुबाव ना.

('गोवा टुडे'च्या बरेपणान)

गोंयचे स्वतंत्र अस्मितायेचो दिश्टावो जाल्लो द्रश्टो पुरूस

गोंय वेगळें उरचें, ताचें घटक राज्य जावचें, कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळची, ती गोंयची राजभास जावची, तिका घटनेचे वळेरेंत सुवात मेळची, गोंय विद्यापीठ जावचें, गोंयचो वेगळो लोकसेवा आयोग आसचो हीं जीं सपनां 48 वर्सां पयलीं केणीबाबान पळयिल्लीं, तीं सगलीं पुराय जालीं. केणीबाबान ते खातीर फकत लेखणीच न्हय, तर बोटां लेगीत झरयलीं. गोंयचे स्वतंत्र अस्मितायेचो दिश्टावो जाल्लो तो एक द्रश्टो पुरूस आशिल्लो.

सुरेश वाळवे



तरणे पिरायेचेर केणीबाब.

1961चे अखेरेक गोंय पुर्तुगेजांचे तावडेंतल्यान मुक्त जालें आनी हांगा पयले फावट मेकळे विचार घुंवपाक लागले. त्या वेळार नवस्वतंत्र गोंय लागशिल्ल्या महाराष्ट्रांत विलीन करचें आनी मराठी हांगाची भास थारची अशें मानपी घटकांनी चळवळ सुरू केली. पुराय चार वर्सां ती चळवळ नेटान चल्ली. महाराष्ट्रवादी अशें नांव धारण करपी एक पक्ष स्थापन जालो आनी ताणें 1963 वर्सा पयली विधानसभा वेंचणूक जिखली. एके परीन महाराष्ट्रांत विलिनीकरण आनी गोंयची भास मराठी ह्या मताचेर शिक्कामोर्तबूच जालें अशें म्हणूं येता. हांव रावतां तो वाठार पुराय महाराष्ट्रवादी. म्हजी स्वताची आवयभास मराठी. तरी लेगीत गोंयचें महाराष्ट्रांत विलिनीकरण जावंक फावना आनी कोंकणीक गोंयांत तिची खाशेली सुवात मेळूंक जाय अशें म्हाका दिसतालें. खरें म्हणचे तेन्ना म्हाका मतदानाचो अधिकारूय नाशिल्लो. पूण म्हजीं मतां नेटान मांडून हांव विलिनीकरणवाद्यां वांगडा वाद घालतालों. ते खातीर आदोगाशीचे मुद्दे मांडटालों. खरें पळयल्यार तेन्ना गोंयच्या फुडाराचो विचार करपा इतली बुद्द म्हजे कडेन आशिल्ली अशें म्हणपाक जावचेंना. तरीय आमी जी 'बॅटिंग' करताले ती उश्ण्या (आनी उश्ट्या) मुद्द्यांच्या म्हालवजार. हे मुद्दे आमकां मेळटाले 'राष्ट्रमत' दिसाळ्यांत. ताचे संपादक स. चंद्रकांतबाब केणी हांकां हांव तेन्ना वळखनाशिल्लों. तेय म्हाका वळखनाशिल्ले. पूण 1967 वर्साच्या 16

जानेवारी ह्या दिसा गोंयचो राजकी फुडार थारावपा खातीर देशांतलो पयलो आनी एकमेव असो ओपीनियन पोल घेवपाचें सर्गेस्त इंदिरा गांधीन जाहीर करतकच म्हज्यान रावं नजो जालें. हांव एक दीस मडगांवां राष्ट्रमतांत वचून केणीबाबांक मेळ्ळों. ती तांची म्हजी पयली भेट. हे गजालीक कांय ना म्हणल्यार आयज 43 वर्सां जालीं. पूण आयजूय तो प्रसंग म्हजे यादींत घट्ट आसा...

हांव कोण, खंयच्यान आनी कित्याक आयलां तें स्पश्ट करतकच केणीबाबाच्या गोऱ्या, धव्या, सुंदर मुखामळार हांशें फुल्लें. तांच्या दोळ्यांत चमकशी दिसली. विलिनीकरण वाठारांतलो एक भुरगो स्वता जावन येता आनी ओपीनियन पोलांत संघप्रदेशा खातीर वावुरपा पासत काम मागता हाची खोस तांकां भोगली.

'म्हाका मत घालपाचो अधिकार ना!' हांवें म्हणलें.

'तूं निशेंवं नाका. आयज ना जाल्यार फाल्यां तुका तो मेळटलोच. तो कोणूच आडावपाक शकना. दुसरें म्हणचे एका मताचो अधिकार नासलो तरी विलिनीकरणवाद्यांचीं धा मतां संघप्रदेशा वटेन तूं हाडपाक शकता'.- तांणी म्हणलें.

'ते (विलिनीकरणवादी) आमच्या वांगडा वाद घालपाक तयार नात. म्हणटात, तुमच्या वांगडा भासाभास करचे परस आमी रेड्यां कडेन चर्चा करीन. 21 वर्सां पुराय करतकच चर्चेक येयात अशें सांगतात.'-

'अशें? तांकां विचारात, रेड्यांक म्हूण मतदानाचो अधिकार आसता? आनी रेड्यां वांगडा भासाभास करपाक तुमीय बी रेडेच काय कितें अशेंय विचारात.'

आब्बा! हो मुद्दो आमचे तकलेंत कसो आयलो ना काय?

फुडें आमी ओपीनियन पोल जिखलो. पूण केणीबाबांच्या 'राष्ट्रमतान' हड्डें बडयलें ना. 'जितं मया!' म्हणत आड्ड्यो मारल्यो नात. तांणी म्हणलें, विलिनीकरणवादीय आमचेच भाव. फकत ते वाट चुकिल्ले. आतां तांकां आपली चूक कळून आयल्या आसतली.

केदें व्हडलें मन! हांव आनीकय प्रभावीत जालों.

पयलीं सिनेमांत आनी मागीर वेवसायीक रंगमाचयेर वचपाचो म्हजो यत्न जेन्ना निर्फळ जालो तेन्ना ग्लॅमरस अशें एकूच मळ उरिल्लें तें म्हणचे पत्रकारिता. एक दीस राष्ट्रमतांत वाचलें, मे म्हयन्यांत मडगांवां पत्रकारितेचो कोर्स जावपाचो आसा. हांवें अर्ज केलो आनी म्हाका आपोवणें आयलें.

आमी साताठ जाण आशिल्ले. पूण फकत म्हाका एकल्याकूच केणीबाबान निमाण्या दिसा आपोवन व्हेलो आनी सांगलें, 'तूं पत्रकारिता हीच करियर करतलो जाल्यार राष्ट्रमतांत जॉयन जा.'

स- सात म्हयने विचार केलो आनी पडटया फळाची आज्ञा मानून राष्ट्रमतांत जॉयन जालों. तो म्हजे जिणेंतलो 'टर्निंग पॉयंट' म्हणूं येता. तेन्ना जर पत्रकार जावंक नाशिल्लों जाल्यार बँकेंतलो क्लार्क, ऑफिसर वा शिक्षक म्हूण निवृत्त जातलों आशिल्लों. पूण पत्रकार तर जालोंच, संपादक जावपाचें भाग्यूय लाभलें. तसोच तीन वर्सां केणीबाबांलो सहवास लाबलो. तांच्या हाता खाला खूब शिकपाची संद मेळ्ळी.

पत्रकार म्हूण हांव वेवस्थीत तयार जावचों म्हूण केणीबाबान म्हाका खूब धांवडायलो. ड्युटीचीं वरां जावन लेगीत ते म्हाका अग्रलेख बरोवन घेवपाक आपयताले. पुलीस स्टेशनार धाडून क्रायम स्टोरीजचें रिपोर्टिंग करपाक लायताले आनी केन्ना केन्ना स्पेशल असायनमॅण्टूय दिताले.

ही गजाल 1974 वर्साचे अखेरेची आसपाक जाय. एक दीस तांणी म्हाका वास्को वचून फ्रॉयलान माशादो हांकां मेळपाक सांगलें. कित्याक? तर ते दितात तें घेवन येवपाचें.

रेल्वेंत बसून हांव गेलों. फुडें विधानसभेचो सभापती जाल्ल्या फ्रॉयलानबाबांक तांच्या ऑफिसांत वचून मेळ्ळों आनी केणीबाबालो रकाद दिलो.

माशाद हांणी म्हाका बारीकसाणीन निरखिलो, पारखिलो आनी मेजाच्या खणांतल्यान पयशांच्यो कांय नोटी काडून एका लाखाट्यांत घालून म्हजे कडेन दिल्यो. हांव पळयत रावलों, हो मनीस म्हाका पयशेशे दिता...?

'टॅल मिस्टर चंद्रकांत केणी, आय एम पेयिंग फॉर द कॉज ॲण्ड हीज वर्ड!' माशादान म्हाका सांगलें.

मुखार म्हाका कळ्ळें तें अशें; कोंकणी भाशेक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळची म्हूण दिल्लींत वचून लॉबिंग करचे खातीर विमानाच्यो तिकेटी घेवपाक ती मजत आशिल्ली. उपरांत 1975 वर्साचे सुरवेक कोंकणीक स्वतंत्र भारतीय भास म्हूण मान्यताय मेळ्ळी आनी ते निमतान वास्को जाल्ल्या खोशी सुवाळ्याचें अध्यक्षपद फ्रॉयलानबाब माशादाक केणीबाबान मुजरत दिलें.

दिवचले सावन पणजे लागीं पडटा म्हूण हांव 1975 वर्सा 'राष्ट्रमत' सोडून 'नवप्रभा' दिसाळ्यांत जॉयन जालों. मात केणीबाबान म्हाका आडायलो ना. उरफाटें, 'ऑल दी बेस्ट!' म्हणत व्हड मनान निरोप दिलो. राष्ट्रमत सोडले उपरांतूय म्हजे तांचे कडेन सदांच बरे संबंद उरले आनी मडगांवां वतकच तांकां मेळप हांवें केन्नाच चुकयलें ना. हांव नवप्रभाचो संपादक जालों तेन्ना केणीबाबाक कितली खोशी जाली म्हूण सांगूं. म्हजे म्हायती प्रमाण सर्गेस्त वसंतबाब धेंपो हांणी स. प्रभाकर आंगले आनी स. केणीबाबाचें मत पयलीं जाणून घेतलें आनी मागीरच म्हाका संपादक म्हूण नेमलो.

एक दीस 'गोमन्तक' दिसाळ्याचे तेन्नाचे संपादक स. चंद्रकांत घोरपडे हांणी म्हज्या नवप्रभेंतल्या अग्रलेखाचेर टिकात्मक अशें संपादकीय बरयलें. म्हज्यान रावं नजो जालें. घोर(त) पड(लेली) पत्रकारिता असो माथाळो दिवन हांवें दुसऱ्या दिसा 'गोमंतक' काराक उजरावन काडलो. खूब्ब जाणांक तो अग्रलेख आवडलो. पूण एकल्या केणीबाबान म्हजो कान पिळ्ळो. 'वाळवे, तुवें अशें करूंक फावोनाशिल्लें. ताची पिराय,अणभव आनी अधिकार हांचो तरी विचार करपाक जाय आशिल्लो.' अशें तांणी म्हणटकच हांवें घोरपडेंची चूक मागली. केणीबाबांच्या बिशाल मनाचो हो अणभव देख घेवपा सारको.

केणीबाब खांपो घोरेवपी. दमण, दिल्ली, मणिपाल अशा कांय वाठारांनी आमी एकठांय दौऱ्याचेर गेल्यात. सांगाता आनीकय संपादक आसताले. पूण केणीबाब म्हाकाच आपलो रूम पार्टनर करतालो. हेरांक आपल्या घोरेवपाचो त्रास जावचो न्हय देखून ही जतनाय तो घेतालो. कितलोय जालो तरी वाळवे म्हजो शिश्य, तेन्ना ताची थोडी गैरसोय जाल्यार चलता ही ताची भुमिका आसूं येता. एकदां म्हाका दिल्लीक देशांतल्या व्हड व्हड साहित्यिकांच्या मेळाव्याक केणीबाबां वांगडा वचपाची संद लाबली. हिंदी, बंगाली, कन्नड, मल्याळम, गुजराती, तामीळ आनी हेर कितल्याश्याच भारतीय भासांतले मोटे सहित्यकार वेदीर आशिल्ले आनी ते सगले केणीबाबाक वळखताले, तांचे कडेन भासाभास करताले. ताचे वयल्यान केणीबाबान राष्ट्रीय साहित्यिकां मदीं जोडिल्ले नामनेची गवाय मेळ्ळी

फुडें केणीबाबान राष्ट्रमत सोडलें. 1 नोव्हेंबर, 2004 दिसा बराबर 41 व्या वाडदिसाक तें बंद पडलें तेन्ना केणीबाबाक जें दुख्ख जालें तें उतरांनी सांगपाक जावचेंना. तांची भलायकी सामकीच इबाडली. जांचें वर्णन हांव सदांच 'राजस, सुकुमार, मदनाचा पुतळा' ह्या उतरांनी करतालों ते केणीबाब पळोवं नजो जावचे इतले बदलून गेल्ले. पार्किन्सनानूच तांचो बळी घेतलो. पूण गोंय वेगळें उरचें, ताचें घटक राज्य जावचें, कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळची, ती गोंयची राजभास जावची, तिका घटनेचें वळेंत सुवात मेळची, गोंय विद्यापीठ जावचें, गोंयचो वेगळो लोकसेवा आयोग आसचो हीं जीं सपनां 48 वर्सां पयलीं केणीबाबान पळयिल्लीं, तीं सगलीं पुराय जालीं. केणीबाबान ते खातीर फकत लेखणीच न्हय, तर बोटां लेगीत झरयलीं. गोंयचे स्वतंत्र अस्मितायेचो दिश्टावो जाल्लो तो एक द्रश्टो पुरूस आशिल्लो. तांचे यादीक म्हजें नमन.

मुळां आनी पांखां आशिल्लो मनीस

चंद्रकांत केणी ह्या व्यक्तीमत्वाक जशीं पाळां मुळां आशिल्लीं तशींच पांखांय आशिल्लीं. दायजाची जाणविकाय आशिल्ल्या ह्या द्रश्ट्या मनशाचेर गांधीवादाचो प्रभाव आशिल्लो. ताचीं मुळां भारताचे समाजीक आनी सांस्कृतीक गिरेस्तकायेचे पिकाळ मातयेंत खोल मेरेन रिगिल्लीं. ताचे लेखीं गोंय म्हणचे भारतीय संस्कृतायेच्या तुऱ्यांतलो गुलाब कसो. कोंकणीचो उपाट मोग करपी आनी गोंय तशेंच गोंयकारांचे वेगळे अस्मितायेची फाटपुरवण करपी केणीबाबाचो दिश्टीकोण केन्नाच संकुचीत नाशिल्लो.

दत्ता दा. नायक

चंद्रकांत केणी आयज आमचे मदीं नात. पूण तांच्यो यादी आमचे मदीं सदांकाळ उरतल्यो. विंगड विंगड तासां आशिल्ल्या व्यक्तीमत्वाच्यो यादीः लेखक केणी, पत्रकार केणी, संघटक केणी, म्हजे सारक्या कितल्याश्याच जाणांचो इश्ट आनी मार्गदर्शक आशिल्लो केणी...

कवी मनोहरराय सरदेसायान बरोवन दवरलां, 'जाचें स्मरण जाता ताका मरण नासता.' खरेंच, यादींत जे उरतात तेच मनांत अमर जावन रावतात. हेरांच्या मानान लेखक चड सुदैवी. कारण तांचें साहित्य म्हणचे मूर्त रुपान थिरावल्लो तांचो संवाद. चंद्रकांत केणयाच्या गद्य साहित्यांत तर ताचे जिणेच्या साबार पांवंड्यांचेर आयिल्ले कितलेशेच अणभव अशेच मूर्त रुपान थिरावल्ले दिसतात.

'साहित्य म्हणचे चित्र, फोटोग्राफ न्हय!', केणीबाब आमकां सदांच सांगतालो. निबंद हो ताचो आवडटो साहित्य प्रकार. निबंद बरयतना ताची प्रतिभा चंवरताली. हे निंबद केन्नाच पत्रकाराचे त्रयस्थ नदरेन बरयिल्ल्या रिपोर्ताजां वरी नासताले. आपल्या दिश्टीकोणाची, मतांची आनी धारणेची चाळण लावन तो आपल्या अणभवांचें सार सोदतालो. हे अणभव थंड, तटस्थ यांत्रीकपणान तो मांडिनाशिल्लो. ताच्या स्वताच्या व्यक्तीमत्वाचो जिवो टट्टीत आनी ताजो टवटवीत दळ त्या बरपाक आसतालो.

चंद्रकांत केणी ह्या व्यक्तीमत्वाक जशीं पाळां मुळां आशिल्लीं तशींच पांखांय आशिल्लीं. दायजाची जाणविकाय आशिल्ल्या ह्या द्रश्ट्या मनशाचेर गांधीवादाचो प्रभाव आशिल्लो. ताचीं मुळां भारताचे समाजीक आनी सांस्कृतीक गिरेस्तकायेचे पिकाळ मातयेंत खोल मेरेन रिगिल्लीं. ताचे लेखीं गोंय म्हणचे भारतीय संस्कृतायेच्या तुऱ्यांतलो गुलाब कसो.

कोंकणीचो उपाट मोग करपी आनी गोंय तशेंच गोंयकारांचे वेगळे अस्मितायेची फाटपुरवण करपी केणीबाबाचो दिश्टीकोण केन्नाच संकुचीत नाशिल्लो. कोंकणी ही तांचे नदरेन गोंयांत उलोवपाक आनी बरोवपाक वापरतात अशी भारतीय भास आशिल्ली. गोंयचे संस्कृतायेक एख खाशेलें वेगळेपण आसलें तरी तांच्या मत्तान ती संस्कृताय भारतीय संस्कृतायेच्या भोवरंगी चित्राचोच एक वेगळावं नजो असो वांटो आशिल्ली. भारतीय संस्कृतायेच्या वैविध्या कडेन पळोवपाचो हो परिपक्व दिश्टीकोण केणयाचे प्रतिभेक पांखां लावन वतालो. त्या पांखांच्या नेटार ते उडटाले, नव्यो तेंगश्यो हुपताले आनी आनी नवीं क्षितिजां तेळटाले.

रुखांक मुळां आसतात, पांखां मात नासतात. शेवण्यांक पांखां आसतात, मुळां नासतात. चंद्रकांत केणयाच्या रुपान आमकां उडट्या रुखाचें अप्रूप

स. चंद्रकांतबाब केणी हांचे यादीक
आमचें मना काळजा सावन नमन

Crisp Delicious & Nutritious Cashew

ZANTYE'S
CASHEW NUTS

SALES DEPOT

SAMRAT ASHOK THEATRE
18th June Road,
Panaji, Goa Tel: 2225144



WORKING HOURS 9.00 AM TO 1.00 PM 4.00 PM TO 8.00 PM

पळोवपाक मेळ्ळें.

केणीबाबाच्यो कथा आनी निबंद सादे सोंपे आनी ल्हान आसताले. वाचतल्याक तकालस दिवची न्हय म्हणपाचें पथ्य ते पाळटाले. तांच्या साहित्याचें रसग्रहण करतल्याक भितर हातपांय मारीत पेंवपाची गरज जाणवनाशिल्ली, उफेतूच तो तें काम करपाक शकतालो. उण्या उतरांनी चड सांगपाचें कसब तांचे ठांय आशिल्लें. वाचतल्याक उसरपत घेवन विचार करपाक मेळचो अशे तरेचे विसव तांच्या बरपांत आसताले. वाचतल्याचे विद्वत्तेचो अपमान तांचें साहित्य केन्नाच करनाशिल्लें. तितलें नितळ पारदर्शी मनमेकळेपण भितर आसतालें.

तांचे कडेन वैचारीक मतभेद आशिल्ल्या मनशांकय तांचो दुस्वास करप जमनाशिल्लें अशें केणीबाबालें व्यक्तीमत्व. उलयतना ते कितें तरी हातचें राखून दवरतात अशें मुखा वयल्याक केन्नाच दिसनाशिल्लें. ते बरयताले अशें म्हणप चुकीचें. आपल्या बरपांतल्यान ते वाचतल्या कडेन उलयताले, संवाद सादताले. तांच्या बरपांत वाचतल्याक शब्दबंबाळ करपी अलंकार नासताले. उतरांची कलाकुसर करीत ते बरयनाशिल्ले. तें बरप वाचतना मातयेचो गंध आशिल्ल्या आनी कृत्रीमतायेचो लवलेश नाशिल्ल्या रान वाटेंतल्या प्रवासाची अनुभुती मेळटाली.

भारताच्या खांची कोनशांनी भोंवडी करपाची संद केणीबाबाक मेळ्ळी. परदेशांत वचपाची संद ते सोडिनाशिल्ले. जंय वताले थंय ते लोकांत रिगताले, तांचे कडेन उलयताले आनी तांचें आयकताले. ह्या संवादांतल्यान आनी भोंवडेंतल्यान पुंजायिल्ल्या अणभवांक लागून तांच्या साहित्यांत विवीधताय येताली. तांचें वाचनूय अफाट आशिल्लें आनी उंचेल्या पांवड्याच्या वाचनांतल्यान जाल्ले संस्कार तांच्या बरपांतल्यान स्पश्ट दिसताले.

लेखक तीन तराचें आसतातः

–मुये वरी, जे एकठांय करतात आनी सांठो करून दवरतात.

– मावले वरी, जे आपले कुडींतल्या रसायनांचो वापर करून जाळ विणतात

– म्होंवा मुसा वरी जे तरातरांच्या फुलांतल्यान म्होंव पुंजायतात आनी त्या म्होंवाचेर आपले पद्दतीन प्रक्रिया करून तें माल्यांत सांठोवन दवरतात.

चंद्रकांत केणी तिसरे तरेचे बरोवपी आशिल्ले. हेरां कडेन संवाद सादपाची कला तांकां बेस बरी येताली. तांचे बराबर कांय वरां उलयत बशिल्ल्याचें भावविश्व गिरेस्त जातालें. मुरबूस खबरांचें भांडार तांचे कडेन आसतालें. दिल्लींतलो आपलो राबितो, काकासायब कालेलकारांचें सानिध्य, पंडित नेहरू कडेन आयिल्लो संपर्क हांच्यो यादी सांगतना ते गुल्ल जाताले.

तांचे मदी एक बरो वक्तोय आशिल्लो. हेरांक चिथावणी दिवपी भावनाप्रधान विचार तांच्या तोंडांतल्यान केन्ना भायर सरले नात. तांच्या व्यक्तमत्वा वरीच ते विचारूय शांत आनी नेमस्त आसताले.

चंद्रकांतबाब सभावान विनम्र आशिल्ले. आपले विद्वत्तेचो लटको अभिमान तांणी केन्ना बाळगूंक ना. विरोधकांच्या मतांक येवकारपाचें तारतम्य तांचे कडेन आशिल्लें. हेरांच्या विचारांक समजून घेवपाचें उक्तेंपण आशिल्लें. आपलें म्हणणें ते कोणाचेर लादनाशिल्ले. आपलें बरप आनी उलोवपांतल्यान ते आपलें म्हणणें शांतपणान, पूण तितल्याच प्रभावीपणान हेरां मुखार मांडटाले. हेरांक दपटावपाचो तांचो सभाव नाशिल्लो. हेरांनी आपलें आयकुचें अशे तरेन ते आपल्या विचारांक आकार दिताले. तांणी आपले खासगी वा भौशीक जिणेंत केन्नाच कोणाचो अपमान करूंक ना. तांच्या बरपाचें वा उलोवपाचें तें व्हड वैशिश्ट्य.

चंद्रकांतबाबान आपले जिणेंत खूब खूब इश्ट जोडले. इश्ट येतात आनी वतात, पूण दुस्मान मात एकवट्टात अशी एक म्हणणी आसा. चंद्रकांतबाबांचे बाबतींत मात उरफाटें जातालें. तांचे दुस्मान आयले आनी गेले, पूण इश्ट मात एकठांय जायत रावले. तांचे इश्ट अगणीत म्हणपा सारके. तेय बी वेगवेगळ्या मळां वयले. लेखक, पत्रकार, कलाकार, वेवसायीक, उद्देजक, धर्मीक फुडारी आनी राजकारणी. म्हज्या सारकिल्या साबार मनशांक ते आपले इश्ट आनी मार्गदर्शक कशे दिसताले. ते नाशिल्ले जाल्यार म्हज्या मदल्या लेखकाक चेतना मेळची नाशिल्ली. हांव 'राष्ट्रमत' आनी 'सुनापरान्तांत' बरोवपाक शकचो नाशिल्लों. म्हजे असलो, एका उद्देजक घराव्यांत जल्माक आयिल्लो मनीस सर्जनशील लिखाण करपाक शकता म्हणपाची जाणविकाय लेगीत म्हाका जावची नाशिल्ली.

चंद्रकांतबाब आपल्या लागशिल्ल्या राजकी फुडाऱ्यांक सल्लोय दिताले. गोंयांतले कितलेशेच उद्देजक समाजीक आनी सांस्कृतीक मळार तांच्या सांगण्या प्रमाणूच पावलां मारताले.

प्रुडंट मिडियाचे संपादक संदेश प्रभुदेसाय हांच्या उतरांनी सांगचें जाल्यार चंद्रकांतबाब म्हणचे पत्रकारितेचें जितें जिवें विद्यापीठ आशिल्लें. राष्ट्रमताचीं सुत्रां हातांत घेतना तांकां मुळा सावन सुरवात करीत सगळीं तासां आत्मसात करचीं पडलीं. एक पत्रकार आनी संपादक म्हूण तांणी अजोड असो वावर केलो. पूण फकत तांच्या वैयक्तीक लिखाणा वयल्यान ह्या वावराक मेजपाक जावचें ना. तांणी साबार तरणाटे पत्रकार घडयले. राष्ट्रमताचें मडगांवचें कार्यालय म्हणचे पत्रकारितचें गुरूकुलच आशिल्लें.

साहित्याच्या मळार संघटक म्हूण चंद्रकांतबाबान वावर केला. उदेंती प्रतिभा तांचे नदरेक रोखडीच पडटाली. कोंकणी भाशा मंडळाचे अध्यक्ष आसतना नव्या बरोवप्या खातीर तांणी साबार कार्यशाळा घडोवन हाडल्यो.

ओपीनियन पोलांतल्या जैता फाटल्यान केणीबाबांचे संघटनात्मक निपुणतायेचो, बुद्दीमान खेळयांचो, इश्ट आनी बरें मागत्यांच्या जाळ्याचो आनी विनम्रतापूर्ण पूण परिपक्व दिश्टीकोणा सयत केल्ल्या यत्नांचो व्हडलो वांटो आसा. कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळोवन दितना, कोंकणीचो आठव्या परिशिश्टांत आसपाव करून घेतना, तिका राज्यभाशेचो मानाचो पाट दितना आनी गोंयाक घटक राज्यांचे वळेरेंत व्हरून बसयतनाय ह्याच गुणांचें दर्शन घडलें. मात खंयच्याय यशाचें सय घेवपाचें तांणी केन्नाच मनांत हाडलें ना. उद्दिश्ट सफळ जालें हातुंतूच ते समाधानी जाले. तें भौसाचें जैत अशेंच तांणी मानलें.

म्हजे आनी तांचे साबार समाजीक आनी धर्मीक मुद्द्यांचेर मतभेद आशिल्ले.

चंद्रकांत केणी खूप श्रद्धावान मनीस आशिल्ले. हांव तसो न्हय. सारस्वत समाजाचें जातीचेर आदारिल्लें संघटन करपांत तांणी फुडाकार घेतिल्लो. म्हाका हें संघटन मान्य नाशिल्लें. तांचे सारकिल्या, धर्मनिरपेक्ष कोंकणी चळवळीच्या एका ज्येश्ठ फुडाऱ्यान एके जातीयवादी माचयेर वचप आमचे मदल्या जायत्या जाणांक मानवलेंना. मात अशे तरेच्या वैचारीक मतभेदांचें पडबिंब आपल्या वैयक्तीक संबंदांचेर पडपाक तांणी दिलें ना हें तांचे व्हडपण. आमच्या मदल्या मतभेदां कडेन दुर्लक्ष करीत एकमताच्या मुद्द्यांचेर संवाद सादपाचे तांचे वृत्तीची म्हाका आयजूय व्हडवीक दिसता. अंतरा सयत एकवट सांबाळपाच्या तांच्या कसबाचें अप्रूप दिसता. आपलें सांवट हेरांचेर पातळावपा इतले कोणाचे लागीं ते गेले नात आनी कोणाकय अप्राप्य दिसचे इतले पयसूय रावले नात.

भौशीक जिणेचीं मुळाक्षरां म्हाका केणीबाबान शिकयलीं. सर्जनशील लेखनाची वाट म्हाका तांणी दाखयली. आत्मविस्वासांतल्यान उर्मटपण दिसचें न्हय आनी मनीसपणांतल्यान दुर्बळटाय दिसची न्हय हें हांव तांचे कडल्यान शिकलों. तांच्या रिणांत हांव सदांच उरतलों.

('गोवा टुडे'च्या बरेपणान)

अक्षर जुळणी • गीता महाजन
मांडावळ • अमोल कामत

जिल्हा ग्रामीण विकास यंत्रणा

राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी योजना

- देशातील ग्रामीण भागातील कुटूंबाना निर्वाहासाठी सुरक्षितता मिळावी हा या योजनेचा उद्देश आहे.
- प्रत्येक आर्थिक वर्षात कमीत कमी १०० दिवस रोजगार उपलब्ध करून देणे.
- १८ वर्षे पूर्ण झालेल्या कुटुंबातील सर्व व्यक्तींना रोजगार मिळेल.
- रोजगार मिळविण्यासाठी जॉब कार्ड (Job Card) करणे आवश्यक.
- जवळच्या ग्रामपंचायतीत अर्ज करू शकतात.
- अर्ज केल्या नंतर १५ दिवसांच्या आत जॉब कार्ड मिळेल.
- जॉब कार्ड मिळाल्यानंतर कामासाठी अर्ज करणे.
- कामासाठी अर्ज केल्याच्या १५ दिवसांआत मजुरी मिळते.
- ठरल्या कालावधीत मजुरी न दिल्यास १५ दिवसांच्या आत बेकारी भत्ता मिळेल.
- रोजगार ग्रामपंचायतीच्या ५ कि.मी. अंतरामध्ये मिळेल. ५ कि.मी. अंतराच्या बाहेर रोजगार दिल्यास १०% अधिक मजुरी मिळेल.
- जॉब कार्ड करण्यासाठी लागणारे दोन फोटो ग्रामपंचायतीतर्फे काढले जातील.
- पुरुष आणि महिला यांना समान मजुरी मिळेल.
- कामांची यादी ग्रामसभेद्वारा ठरविली जातील.
- शेत, कुळागर, वन आदीची योग्यरित्या संवर्धन तशेच रक्षण करण्यासाठी कामे करता येतात.
- ह्या योजनेद्वारे कंत्राटपद्धतीवर कामे करता येत नाहीत तसेच शक्यतो यंत्र वापरता येत नाहीत.
- सामाजिक परिक्षण ग्रामसभेद्वारे करता येते.
- बँक किंवा पोस्ट ऑफिस खाता नंबर देणे सक्तीचे कारण मजुरी खात्यावरच जमा केली जाईल.
- अधिक माहितीसाठी जवळच्या ग्रामपंचायतीत नेमणूक केलेल्या ग्राम रोजगार सहायक अथवा गट विकास अधिकारी कार्यालयात नेमणूक केलेल्या कार्यकारी अधिकारी यांची मदत घेता येते, तसेच १८०० २३३ १८२३ ह्या नंबरावर फोन करून माहिती घेता येते.

गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक मळा वयलो तेजिश्ट लामणदिवो

बातमी कशी बरोवची, माथाळे कशे दिवचे, ती बातमी कशे तरेन मेळोवची हें बरे भाशेन तो शिकयतालो. तांचें व्हडपण आमकां ते राष्ट्रमत आनी सुनापरान्त दिसाळ्याचे संपादक आसतना पळोवंक मेळ्ळां. बातमी कंपोज करपा सावन, पेस्टिंग करपा मेरेन, प्रुफरिडिंग ते बातम्यो बरोवप, माथाळे दिवप, अग्रलेख बरोवपा मेरेन निश्टेन काम करताले. तातूंत न्हानपण दिसनासलें. खंयच्याय विशयाचेर हजरबाबीपणान ते बरयताले. डिक्टेशन घालताले.

अर्नाल पं

ऑक्टोबर 1984 तली खबर. स. चंद्रकांतबाब केणी वांगडा आमी तीग जाण बेळगांवां कुळागर म्हैनाळ्याच्या छापणावळी खातीर गेल्ले. तिनसांजचीं कामां सोंपोवन बाजारांत भोंवताले. रातचीं साडेसात वरां जाल्लीं आसतलीं. अचकीत मळबांतल्यान चार पांच नखेत्रांचो पुंजो जोगलावरी लख्ख उजवाडांत तुटून सकयल पडलो. तो पळोवन चंद्रकांतबाबान म्हणलें, 'तुमी पळयलां कितें पडलां तें? देशाचेर एक व्हड अरिश्ट येवपाचें आसा. खंयच्या एका नामनेच्या राष्ट्रीय फुडाऱ्याक मरण येतलें, एक तीन चार दिसां भितर. पळयात तुमी! आनी जे दिकेक सावन नखेत्रां तुटून पडल्यांत ते संबंदान खबर सांगली. दुसऱ्या दिसा म्हणल्यार 30 ऑक्टोबराक आमी गोंयांत परतले. आनी 31 तारखेक एक व्हड अरिश्ट देशाचेर कोसळ्लें. भारताच्यो प्रधानमंत्री श्रीमती इंदिरा गांधीचो सुरक्षा रक्षकानी गुळयो घालून खून केलो.

स. चंद्रकांतबाबाक भविश्याचो अभ्यास आशिल्लो. तांचो बापूय जाका आमी 'दादा' म्हणटाले ते स. शांतारामबाब केणी भारतांतले नामनेचे ज्योतिशी आसले. तांचीं पुस्तकां वाचून आनी तांचे कडल्यान ज्योतीशशाश्त्रांतल्यो खबरी आयकून घेतिल्ल्यो. आनी तांकांय ज्योतीशशास्त्राचे गिन्यान घेवपाची उमळशीक आशिल्ली. गोंय आनी गोंयां भायले साबार जाण भविश्य विचारपाक 'जातक' घेवन येताले. जातक पळोवन, हात आनी तोंडावळो नियाळून तांच्या प्रस्नाच्यो जापो ते दिताले. हें सगळे स. केणीबाब आवड म्हूण करताले.

गोंयांत वा गोंया भायर कामा निमतान गेल्ल्या वेळार कोणय तरणाटो वा तरणाटी मेळ्ळी जाल्यार, तांच्या घर, शिक्षणा संबंदान विचारताले आनी हात पळोवन तांकां फुडारा विशीं सांगताले. कर्नाटकांत पर्तगाळी मठ आनी कोंकणी वावरा खातीर सदांच वचप जातालें. केन्ना मठांत, केन्ना देवळांत वा सभाघरांनी कार्यावळी जाताल्यो. दनपरां जेवतकच,एक बायल येताली, नमस्कार करताली आनी चलयेक दाखोवन म्हणटाली, 'केणीमाम, हिगेली व्हाड्डीक केन्ना जातली वे? हात पळोवन सांगल्यार भारी उपकार जायत!' उपरांत स केणीबाब हात पळोवन तांकां प्रस्न विचारून मन धादोशी जायत अशा उतरांनी सांगताले. अशें जायते फावटी घडलां.

उपरांत दोन तीन म्हयन्यानी तिच्या लग्नाची व्हौंवळीकय केणीबाबांक येताली आनी दुसरे फावट त्या गांवांत वा कार्यावळीक गेले जाल्यार ती बायल, घोव मुद्दाम येवन नमस्कार करतालीं आनी उपकार आठयतालीं. हें साबार फावटी म्हाका पळोवंक मेळ्ळां. सुमार तीस वर्सां तांकां लागींच्यान पळोवपाची, तांचे कडल्यान शिकपाची आनी मार्गदर्शन घेवपाची संद म्हाका

मेळ्ळ्या. गोंय वा गोंया भायर खंयूय वतना हांव तांच्या वांगडा आसतालोंच. हाव, प्रभाकर कुंकळयेंकार, नारायण वादोळकार आनी नारायण मावजो हे वांगडा वताले.

केन्ना खंयूय बचपाचें आसल्यार चार दीस पयलीं ते कार्यावळ थारायताले. आपूण गाडी चलोवन घेवन वताले. मागीर तें पणजी, वास्को, काणकोण आसूं वा मंगळूर, कुमठा, होन्नावर, बेळगांव, हुबळी. स चंद्रकांतबाब म्हणल्यार 'ज्ञानकोश'. दीसपट्टे जिणेंत घडिल्लें तांणी अणभविल्लें, देश विदेशांतली भोंवडी करतना, साहित्यीक, पत्रकार वा तरेकवार व्यक्तीं कडेन आयिल्ल्या संबंदांतल्या यादींचें भांडार तांचे तकलेंत सांठयिल्लें आसतालें. मडगांवां सावन मंगळूर बच मेरेन त्या भांडारांतलो एक खण उक्तो करून, नकसूद उतरांनी, तरेकवार देखी दिवन ते खबरी सांगताले. वझ्ऱ्याच्या अखंडीतपणान व्हांवत्या उदका भाशेन. स. चंद्रकांतबाब एक विश्वविद्यालय आशिल्ले म्हणल्यार अतिताय जावची ना. ह्या विश्वविद्यालया कडेन जाचो संबंद आयला तो सगळे तरेचें गिन्यान घेवनच, खुशालभरीत जावन, जिणेंत कर्तृत्व करूंक पावला.

चंद्रकांतबाबाच्या व्यक्तीमत्वाचीं साबार तासां आसलीं. देश आनी विदेशांत बरे मागपी आसात. दिल्लीक विश्व हिंदी संमेलन भरिल्लें, तेन्ना ते नामनेच्या हिंदी साहित्यिकां मदीं कितले लोकप्रिय आसात तें हांवें पळयिल्लें. स. चंद्रकांतबाब गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापीठाचे कार्याध्यक्ष आशिल्ले. तांच्याच मुखेलपणाखाला पांच जाणांचें प्रतिनिधी मंडळ विश्व हिंदी संमेलनाक गेलें. ह्या संमेलनाक देश विदेशांतल्यान हजारांनी प्रचारक, लेखक, साहित्यकार आयिल्ले. नामनेचे लेखक जैनेंद्रकुमार, कमलेश, हिमांशु जोशी आनी जायते. सगळे जाण येवन चंद्रकांतबाबांक वेंग मारताले आनी साहित्यीक गजाली बऱ्योच वेळ रंगताल्यो. इतलेंच न्हय तांणी आपलीं पुस्तकां भेट म्हण दिवचीं. कोंकणी कथां विशीं भासाभास जाताली आनी ते हिंदी लेखक, प्रकाशक, कोंकणी कथा हिंदींतल्यान अणकारपाक मागताले. कोंकणीचे नामनेचे कथा लेखक म्हणुनूच हिंदी साहित्यीक बाठारांत केणीबाबांक भोंवमान आसलो. कोंकणी कथेक राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मळार पावोवपाचें काम तांणी केलां.

चंद्रकांतबाब केणी अखंड लिखाण करपी आगळे वेगळे साहित्यीक. वेगवेगळ्या विशयांचेर भारदस्त, कुशळ शैलीन ते बरयताले. कोंकणी वांगडा मराठी, हिंदी, इंग्लिश भाशेंतल्यान तोलामोलाचें साहित्य तांणी रचलां. तांचीं 50 परस चड पुस्तकां उजवाडा आयल्यांत. कोंकणी साहित्याच्या मळार सातल्यान आनी अखंडीतपणान बरोवपी भौमानेस्त रवींद्रबाब केळेकार आनी स. चंद्रकांतबाब चिंतनशील आनी ललित साहित्य बरोवपी. चंद्रकांतबाब एक फाकिवंत पत्रकार. गोंय सुटके आदीं ते दिल्लीक काकासायब कालेलकराचे सचीव म्हणून काम करताले. थंय आसतना, व्हड व्हड राजकारणी, फुडाऱ्यां लागीं तांचो लागींचो संबंद आयलो. ताचो उपेग तांणी गोंयचे स्वतंत्रताये खातीर आनी गोंयचें व्हडपण दाखोवपा खातीर केलो. दिल्लींत काकासायबा म्हऱ्यांत आसतना गांधीवादी विचारांचो प्रभाव तांचेर पडलो. तांतल्यान तांच्या मनाची जडणघडण जावंक पावली.

थंय बंगाली, गुजराती, हिंदी साहित्यीक आनी साहित्या कडेन लागींचो संबंद आयलो. नामनेच्या पत्रकारांक मेळपाची, भासाभास करपाची संद मेळ्ळी. ताचो उपेग तांकां पत्रकारितेच्या मळार जालो. गोंयचे सुटके उपरांत गोंयची भास मराठी आनी गोंयचे महाराष्ट्रांत विलिनीकरण करचें अशी मागणी जाली. गोंयचीं आनी महाराष्ट्रांतलीं मराठी दिसाळीं विलिनीकरण जावचें म्हणपाचीं धुमशेणां घालपाक लागिल्लीं. हाची खंत केणीबाबांक जाली आनी गोंय वेगळें उरचें, गोंयची भास कोंकणी म्हण सांगपा खातीर एक मराठी दिसाळे जाय अशें तांकां दिसलें आनी कोंकणी मोगी, लेखकांक मेळून तें सुरु करपाचें थारायलें. गोंयच्या नामनेच्या उद्देगपतींक मेळून 'राष्ट्रमत' हें दिसाळें सुरु केलें. त्या दिसाळ्यांतल्यान खरपणान, मुद्देसूदपणान तांकां जापो दितालें आनी गोंयच्या फुडारा खातीर गोंय वेगळें उरपाची गरज आसा तें पटोवन दिताले.

आदले पंतप्रधान मोरारजीभाई देसाई हांच्या सांगाता केणीबाब.

तांच्या हाता खाला पंचवीस वर्सां तरी पत्रकारितेच्या मळार काम करपाची संद मेळ्ळ्या. बातमी कशी बरोवची, माथाळे कशे दिवचे, ती बातमी कशे तरेन मेळोवची हें बरे भाशेन तो शिकयतालो. तांचें व्हडपण आमकां ते राष्ट्रमत आनी सुनापरान्त दिसाळ्याचे संपादक आसतना पळोवंक मेळ्ळां. बातमी कंपोज करपा सावन, पेस्टिंग करपा मेरेन, प्रुफरिडिंग ते बातम्यो बरोवप, माथाळे दिवप, अग्रलेख बरोवपा मेरेन निरेटेन काम करताले. तातूंत व्हानपण दिसनासलें. खंयच्याय विशयाचेर हजरबाबीपणान ते बरयताले. डिक्टेशन घालताले.

सद्दां सकाळीं 8.30 वरांचेर राष्ट्रमत कचेरेंत येवन तांकां आयिल्ल्या पत्रांक जापो बरयताले. उपरांत कामाक लागताले. तें करतनाय तांणें गोंयांत पत्रकार, लेखक घडयले. तांच्या हाता खाला तयार जाल्लें पत्रकार गोंयांत दिसाळ्याचे संपादक जाले. तांणी मुल्यनिश्ठ पत्रकारितेची उजू देख गोंयाक दिल्ली. सिद्धांतीक संघर्शाच्या तेमकार लेगीत समर्पीत पत्रकारितेचें दायज तांणी चलयलें. मंगळूराक परिशद करप म्हणल्यार संन्याशाक लग्न करपा सारकें आसलें. थंय हिंदू आनी क्रिस्तांवांक एकठांय करून भाशा मंडळाचो गाडो रुळार हाडपाचो आसलो. त्या वेळार दोन म्हयने मंगळूराक यो वच करून तांणी सगळ्यांक एकवटीत केलें. तांच्या वांगडा हांवय आसलों. अखंडीतपणान केल्ल्या यत्नांक लागून ती परिशद व्हडा दबाज्यान जाली.

चंद्रकांतबाबाक मंगळूराक मानाची बागणूक मेळटाली. के.के. पै हे सिंडिकेट बँकेचे अध्यक्ष आसले. तेन्ना गोंयचे उद्देगपती, खणींचे धनी रीण मेळोवपा खातीर तांकां मेळूंक बताले आनी दोन दोन दीस राखताले. पूण चंद्रकांतबाब मंगळूराक बचना फुडें पांच मिनटांत तांकां के. के. पै मेळटाले. कोंकणीच्या वावराक लागून के.के. पै कडेन घरगुती संबंद आसले. आनी निमण्या स्वासा मेरेन ते तशेंच आसले. ते गोंयांत येतात जाल्यार केणीबाबाक फोन करून येताले. आनी अर्ध बर वा एक वरा खातीर ते एकामेकांक मेळटाले. चंद्रकांतबाब हे कोंकणींचे आनी गोंयचे एक ज्येश्ठ सेवक. गोंयचे समाजजिणेंत एकरूप जाल्ले ते कल्पक, फुडाराचो बेध घेवपी, राजकारण,

समाजकारण, अर्थकारण आनी धर्मकारण हांचे अभ्यासू आसले. अशें आसुनूय नमळायेचे, निगर्वी सभावाचे.

गोंयकार गोंयांत आसूं वा गोंया भायर ताका भुंयेची ओड सदांच आसता. गोंयचो भुगोल मन भाळयता, तितलोच इतिहास वेदनांनी, खंतींनी आनी पुरूशार्थाचे व्हडविकेन भरिल्लो आसता. तांणी गोंय आनी गोंयकार ह्या सदरांतल्यान, गोंयची व्हडवीक गावपी आनी राजकारण्याच्या सुवार्थाक लागून गोंय दोळ्यां मुखार इबाडटा तें पळोवन खंती जावन, गोंयकाराचे दोळे उक्ते करपी विचार उक्तायल्यात. लोकांच्या हावेसाच्यो आनी निर्शेणेच्यो कथा बरयल्यात. गोंयच्या इतिहासांत बुचकळ्यो मारून खूब मोलादीक रत्नां भायर काडल्यांत. राजकारणी खंय चुकतात तें सोंपे आनी गोड उतरांनी सांगलां. तांणी 50 वर्सांमदीं 1500 कथा, 750 निबंद, 5-6 कादंबरिका, साबार ललीत निबंद आनी कथिका बरयल्यात.

राष्ट्रमत दिसाळ्यांतल्यान 'मनोगतान' क्रांती केल्या. तांतल्यो घडणुको खंयच्याय मनशा कडेन संबंद लावपी आसताल्यो. आयतार येना फुडें त्यो वाचून ताका शेंकड्यांनी फोन येताले आनी खास कांय जाण राष्ट्रमत कचेरेंत वा घरा कडेन येवन भासाभास करून वताले.

जेन्ना आमी गोंया भायर वताले तेन्ना बारीकसाणीन सगळें नियाळून घेताले आनी सकाळीं स वरांचेर उठून म्हाका उठयताले आनी म्हणटाले एक 'मनोगत' बरोवया. तें डिक्टेशन सदांच हांव घेतालों. तें बरोवन जातकच बराबरचे वांगडी भासाभास करताले. घरांत वा कचेरेंत आसूं वा भोंवडेक गेल्ले कडेन हॉटेलांतय ताचें लेखन चालूच आसतालें. तीस वर्सांच्या सांगाताक आसतना, साबार गजाली तांचे कडल्यान शिकूंक मेळ्ळ्यात. एक मनीस आपलो इश्ट जालो म्हणटकच, घरांतलो वांगडी कसो वागताले. ताच्या सुखदुख्खांत भरसताले. अशे ते व्हड मनाचे मनीस आसले. तशेंच भावूक. कसलीय वायट घडणूक घडली जाल्यार ते तळमळटाले आनी दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं.

सारस्वत आनी पर्तगाळी मठा कडेन तांचो संबंद येतकच तांचेर खर टिका जाल्या. पूण शांत रावन वेळ मेळटा तेन्ना जापो दिल्यात. ताणें मठाचो आदार घेवन कोंकणी भास, कोंकणी मनशाक जोडपाचो यत्न केलो आनी कोंकणी कर्नाटक, केरळ आनी मुंबय पावयली. हें काम हे आदीं कोणेंच करूंक नासलें. आपल्या जिवितांक इश्ट मेळयले आनी इश्टागत वाडयली. टिका करपी लोकांचे लेगीत ते इश्ट आसले. सगळ्यां कडेन संबंद घट करपाचें काम तांणी आपल्या जिवितांत केलें. भोवभाशी भारतांत सांस्कृतीक नदरेन कोंकणी समाज संघटीत करून राष्ट्रीय एकवटाची भावना घटसाणेन वाडीक लावपाचें काम तांचे इतलें कोणेंच केलेंना.

राष्ट्रमत दिसाळें अर्थीक संकटाक लागून बंद पडपाचे वाटेर पाविल्लें तेन्ना तांणी लाखांनी रुपयांचें रीण घेवन, कर्मचाऱ्यांक पगार आनी सेवाकाळांतली लुकसाण भरपार दिल्या. त्या रिणाचें वजें मरतना लेगीत तांचे तकलेर आसलें. पूण ही खबर कोणाकच सांगली ना. आपले खातीर त्यागी भावनेन राष्ट्रमतांत वावुरप्यांक आपल्याच घरांतले वांगडी मानून तांकां भरपाय दिली. ह्या मनीसपणाच्या सभावाची, वृत्तीची तुळा आनीक खंयच करूंक जावची ना.

गोंयच्यो सगळ्यो मागण्यो पुराय जाल्ल्यो तांणी पळयल्यो, कुटुंबांतले आनंदाचे दीस भोगले. गोंयच्या गिरेस्त सांस्कृतीक मळार पांच स दसकां लामणदिव्यावरी अखंड तेजान भरिल्ले, लोकप्रिय व्यक्तीमत्वाचे चंद्रकांतबाब आमी इश्टमित्रांनी हें वर्स अमृत महोत्सवी वर्स मनोवपाची तयारी केल्ली. पूण तें भाग्य आमकां मेळ्ळेंना. ते आयज आमचे मदीं नात. पूण तांणी आमचेर घडयिल्ले संस्कार काळजांत घट आसात. ते आमचें स्फुर्तीस्थान आसले. साहित्यीक, समाजीक आनी सांस्कृतीक मळार वावुरतना सदांच तांची याद जाता आनी मन सुन्न जाता.

स. चंद्रकांतबाब केणी हांचे यादीक
आमचें मना काळजा सावन नमन



Marpol Pvt. Ltd.

Margao-Goa

Government of Goa

Directorate of Sports & Youth Affairs

Campal, Panaji-Goa

Develop your personality achieve excellence through participation in the sports and youth related programmes of the Directorate of Sports & Youth Affairs...

AVAIL OF THE FOLLOWING FACILITIES/SCHEMES

- Conduct of Primary/ Middle/ Secondary and Higher Secondary Schools/ Sports Festivals.
- Development of Playground at School, Village Panchayat level and Taluka level.
- Conduct of refresher courses for Physical Education Teachers/ Coaches, etc.
- Supply of sports equipments to Government and Non-Government Schools.
- Promotion of Yoga Education.
- Establishment of maintenance of Vyayamshalas (Gymnasia).
- Celebration of days of State and National importance.
- Conduct ot Civil Services Sports for Government employees.
- Release of grants to the Sports Authority of Goa.
- Conferring of State Sports Awards.
- Grant of Non-Government Secondary Schools and Colleges, for development of Plygrounds/ Multipurpose Halls.
- Establishments of Sports Hostels.
- Promotion of National Cadet Corps (N.C.C.) at School, Higher Secondary and Colleges.
- Promotion of National Service Schemes (N.S.S.) at School, Higher Secondary and Colleges.
- Promotion of Junior Red Cross at School level and Youth Red Cross at Higher Secondary level Education.
- Promotion of Scouts and Guids activities at Secondary School level.
- Promotion of Youth Welfare Programmes for students and non-students.
- Celebration of National Youth Week.
- Establishment of Camp Sites for promotion of Youth Activies.
- Promotion of adventure activities for youth.
- Establishment of Youth Hostels.
- Conferring of State Youth Awards.
- Recommendations for National Youth Awards.
- Conduct of Youth Festivals at District and State level.
- Inter State exchange of youth schemes.

Issued By

Directorate of Sports & Youth Affairs

Campal, Panaji-Goa

पत्रकारितेची प्रयोगशाळा

चंद्रकांतबाब हेच एक पत्रकारितेची 'प्रयोगशाळा' आनी 'वर्कशॉप' कशे.आयच्या वेगान बदलपी पत्रकारितेंत तांच्या काळांतली पत्रकारिता घडये 'ओल्ड-फॅशन्ड' थारूं येता. पूण पत्रकारितेचो मूलमंत्र, मुल्यां, हेत आनी लागणूक ह्यो गजाली बदलूंक शकनात. देखून गोंयांतल्या 'कमिटेड' तरी पुरायपणान जापसालदार पत्रकारितेचो विचार करतना चंद्रकांतबाबांचें नांव वयल्या पांवड्यार येवंकूच जाय हाचे विशीं म्हज्या मनांत तरी दुबाव ना.

प्रकाश कामत

पत्रकारितेच्या मळार हांव वावुरतां. ह्या मळाक पवित्र मानतात. पूण करतां-करतां हें मळ समाजाच्या हेर वाठारांनी पळोवंक मेळटात त्या सगळ्या अनिश्ट गजालींन म्हेळें जावंक लागलां. नवे पत्रकार हांगा देख घेवपाक आदर्श सोदतात तेन्ना तांकां निर्शेणी येवपा सारकी परिस्थिती येवंक लागल्या.

म्हजे सारके जायते जाण गोंयचे पत्रकारितेच्या मळार 20-22 वर्सां फाटीं आयले तेन्ना देख घेवपा सारके जे मेजकेच लोक ह्या मळार आसले तातूंत एक नांव बरेंच फुडें आसलें... तें म्हणल्यार स. चंद्रकांतबाब केणी हांचें. आमी तांकां चंद्रकांतबाब म्हण.

चंद्रकांतबाबा कडल्यान हांव पत्रकारितेचे मुळावे धडे शिकलों. हांवें पत्रकारितेचो खंयचोच अधिकृत कूर्स करूंक ना. चंद्रकांतबाब हेच एक पत्रकारितेची 'प्रयोगशाळा' आनी 'वर्कशॉप' कशे.आयच्या वेगान बदलपी पत्रकारितेंत तांच्या काळांतली पत्रकारिता घडये 'ओल्ड-फॅशन्ड' थारूं येता. पूण पत्रकारितेचो मूलमंत्र, मुल्यां, हेत आनी लागणूक ह्यो गजाली बदलूंक शकनात. देखून गोंयांतल्या 'कमिटेड' तरी पुरायपणान जापसालदार पत्रकारितेचो विचार करतना चंद्रकांतबाबांचें नांव वयल्या पांवड्यार येवंकूच जाय हाचे विशीं म्हज्या मनांत तरी दुबाव ना.

1986 वर्साचे अखेरेक 'सुनापरान्त' हें कोंकणींतलें पयलें दिसाळें येवपाचें जाहीर जालें तेन्ना हांव, संजीव वेरेंकार, सुनिता धेंपे (आतां प्रभुगांवकार) दामोदर घाणेकार, केतन भट आनी शिरीष पै हे तरणाटे 'राष्ट्रमतांत' चंद्रकांतबाबांचे पत्रकारितेचे 'प्रयोगशाळेंत' स म्हयने सतत शिकले. हांव फाटलो विचार करता तेन्ना -तेन्ना म्हाका स्मरता की चंद्रकांतबाबांनी आमकां जें पत्रकारितेचें मुळावण घालून दिलें ताचो उपेग पावला कणकणी म्हाका फुडले म्हजे पत्रकारितेंतले वाटचालींत जालो, जायत आसा. चंद्रकांतबाबांच्या हाता सकयल दाखल जावचे आदीं म्हाका तांची दोन प्रसंगांनी लागींच्यान 'वळख' जाल्ली. ताचे बरपावळी विशीं हांव म्हणिना. तें थोडेंशें वाचिल्लेंच.

1982 वर्सा हांव मडकय, आमच्या गांवांतल्या मडकय युवक संघाचो सचीव आसलों. आमच्या एका चार दिसांच्या नाट्य महोत्सवाच्या उक्तावणाक म्हूण तेन्ना गोंयांत नव्यानच आयिल्ले पत्रकार नारायण आठवले हांकां हांवें व्हेल्ले जाल्यार समारोपाच्या सुवाळ्याक चंद्रकांतबाबांक. आठवलेंनी 'गोवा हा महाराष्ट्राचा अविभाज्य सांस्कृतीक घटक आहे' असली सदची भास केली. पूण चंद्रकांतबाब आयले आनी तांणी म्हाका, 20-22 वर्सांच्या तरणाट्यांक, कार्यावळीचे आदीं आनी उपरांतय कांयच वेळ वाया घालयनासतना गोंयकारपण, गोंयचे हुस्के, गोंयकारपण सांबाळपाक गोंयच्यो

केरळा जाल्ले एके कार्यावळी बेळार साहित्य अकादेमीचे अध्यक्ष डॉ. यू. आर. अनंतमुर्ती हांच्या सांगाता पुंडलीक नायक, रमेश वेळुस्कार, केणीबाब, दामोदर मावजो, मनोहरराय सरदेसाय आनी रवीन्द्र केळेकार.

आचार्य काकासायब कालेलकार आनी रवीन्द्र केळेकार हांच्या सांगाता केणीबाब.

जमनी विकप ना कितलें म्हत्वाचें, असल्या गजालींनी सामको 'मॅसमरायज' केलो. जाहीर कार्यावळींतय तांणी ह्योच विशयाचेर भाशण केलें. तेन्ना म्हज्या मनार 'हे एक खूब वेगळे मनीस गोयकारपणाचो हुस्को करपी संपादक' असो जो गंभीर प्रभाव पडलो तो कायमचोच.

आनीक एक फाबट तांचे पत्रकारितेंतल्या 'फॅरनेस' विशीय म्हाका अणभव आयिल्लो. आमच्या क्लबाचे एके कार्यावळीक फामाद सिने नट अमोल पालेकार मुखेल सोयरो म्हणून हाजीर आसतले अशें एका कोणें आमच्यांतल्याच मनशान बेठेंच 'राष्ट्रमताचेर' छापून हाडलें. ताच्या कोंतान तशें केल्ल्यान आमचे कार्यावळीक लोकांचो व्हड प्रतिसाद मेळटलो. म्हजे नदरेन हें बेजापसालदारपण. जेन्ना तें छापून आयलें तेन्ना हांवें क्लबाचे कार्यकारिणीची बसका घेवन खुलासो बरयलो आनी थेट चंद्रकांतबाबां कडेन गेलों. म्हजी तांची अजिबात अधिकृत वळख नाशिल्ली. म्हजो खुलासो वाचतकच तांकां कितें म्हणून कोण जाणा, आमी ही स्टंटबाजी केल्या अशें दिसलें आनी तांणी म्हाका उबो-आडवो उजगयलो. प्रसिद्धी खातीर नाटकां करतात आनी पेपरांची सुवात, विस्वासार्हता आनी बेळ वगडायतात अशी म्हजी खरडपट्टी तांणी केली. हांवें शांतपणान तांचें म्हणणें आयकलें आनी खुलासो पत्र तांच्या मेजार दवरलें आनी आयलों. मनांत म्हणलें, हो तें काढून कोयराच्या आयदनांत उडयतलोशें दिसता आनी क्लबाच्या 'विरोधी गुटाक' आमचें 'तासपाक' संद मेळटली- फटीच्यो खबरी छापून हाडटात म्हणून अशें चिंतेत आमलो.

पूण दुसऱ्या दिसाचे 'राष्ट्रमत' हांवें घेवन पळयत जाल्यार म्हजो पुराय खुलासो छापून आयिल्लो. म्हज्या मनांत संपादका विशीं आनी ताचे 'फॅरनेस' पणा विशीं उपाट आदर निर्माण जालो.

चंद्रकांतबाबांच्या मार्गदर्शना खाला जें 'राष्ट्रमतांत' आमकां शिकपाक मेळ्ळें तें तांणी वेगळें शिकोवंक ना. तांचो कृतींतल्यान आनी तांचे कडेन सहज चलपी चर्चा-संभाशणांतल्यान तें शिकप चलतालें.

तांचो कामाचो झपाटो आकांताचो. एका हातान 'पीटीआय' वृत्तसंस्थेचे 'टिकर्स' काढून देश-विदेशांतल्या खबरांचो नियाळ करप, म्हत्वाच्यो खबरी ट्रान्सलेट करपाक दिवप, वांगडाच आपलो 'मनोगत' हो कॉलम आपली सचीव सौ. कुडतरकार हांकां डिक्टेट करप, म्हणटा मर संपादकीय 'डिक्टेट' करप. मदींच आमी कितें करतात ताचेर नदर. मदींच नुटके, खबरी, यादी. मदींच अमकी-अमकी कार्यावळ जावपाची आसा ती कोण 'कवर' करून हाडीत अशें विचारून 'आमची तयारी' जोखपाचे यत्न. अशें खेळी-मेळीच्या वातावरणांत आमचें ट्रेनिंग चलतालें. चंद्रकांतबाबांक हांवें कोणाचेरच तापिल्ले

आनी वितरागिल्ले पळोवंक नात. ते समजावन सांगी, केन्ना केन्ना विनोदाचो आदार घेयी. पूण कोणाकच ना उमेद करतनाय हांवें तांकां पळोवंक ना. एक फावट तांणी म्हणलें, 'पत्रकार हो वड जावन व्हड जावचो न्हय... तो केळ कसो आसचो. वडाच्या व्हडपणाचो लाव -सावळी- जरूर मेळटा हेरांक, पूण हेरांक व्हड जावपाची संद तो दिना. केळ व्हियेतकच भोंवतणी कितले घसघशीत केंळबे दिवन वता तें म्हत्वाचें.' असोच चंद्रकांतबाब प्रत्यक्षांत पत्रकार म्हणून वावुरलो. सुरेश वाळवे, राजू नायक... कितलेशेच नामना मेळयिल्ले पत्रकार तांणी शिकोवन तयार केले. आमचें ट्रेनिंग चालू आसतनाच्या काळांत हांव ट्रेनिंगा वेळे उपरांत, वा फावत्या वेळांत आनी जायते फावट खास वेळ काडून राष्ट्रमतांत वच आनी ओपीनियन पोल वेळा वयले राष्ट्रमताचे अंक कोठये कुडींतल्यान काडून चाळी आनी वाची. तांचे कडेन उलयतना फाटल्या घडणुकांचो खुलासो मागी. ते सामके उमळशिकेन खुलासो करताले. गजाली सांगताले. म्हाका प्रोत्साहन दिताले. संदर्भ, विश्लेशण, इतिहास, सगळें तांचे कडेन मेळ. ट्रेनिंगाचे मजगतीं आगशी एका रेड्यान धिरयां वेळार एका मनशाक फाळ्ळो ही खबर हांवें खास 'ह्यूमन इंटरेस्ट स्टोरी' राष्ट्रमताक दिल्ली. त्याच काळांत म्हापश्यां मराठी साहित्य संमेलन जालें तातूंत रणजीत देसाय ह्या नामनेच्या साहित्यिकाचें उक्तावण सुवाळ्यांतलें गाजिल्लें भाशण हांवें 'राष्ट्रमताक' दिल्लें आनी संमेलन 'कवर' करून **जो नियाळ** राष्ट्रमतांत बरयलो ताची कवतुकाची थाप तांणी **फाटीर** दिल्ली. असल्या गजालींनी पत्रकार जावपाची उमळशीक आनी प्रेरणा वाडत वताली. सुनापरान्ता खातीर सुरवातीच्या काळांत जे कांय 3-4 खास अंक आमी काडले त्या वेळार चंद्रकांतबाब आमच्यांतल्या सगळ्यांची 'स्कील आनी तांक' कशे तरेन मेजताले, वाडयताले ताची म्हाका अजून घट्ट याद जाता. सुनिता हें सामकें झपाटिल्ले वरी काम करपी मनीस. ताचे कडेन कसलीय जापसालदारकी दिली की मागीर कोणेंच कसलीच हयगय केल्ली तें खपोवन घेवपी न्हय. **हांव** पणजे प्रतिनिधी म्हणून काम करतना **तें** 'सुनापरान्ताच्या' डॅस्कार पुरवणेची म्हत्वाची जा**पसालदारकी** सांबाळी. कितेंय खबर, फोटू वा पुरवणेच्या साहित्याचें 'मॅटर' वेळच्या वेळार धाडलेंना जाल्यार कितें जातलें ताचो हुस्को चंद्रकांतबाब म्हाका केन्नाच बेजार जावन वा तापून सांगी नासले. 'प्रकाश, म्हाका सुनिताच्या तोंडात घालूं नाका रेऽ' अशें ते म्हणी.आमचें ट्रेनिंग जालें आनी सुनापरान्त सुरू जावपाचो वगत लागीं आयलो. एक दीस चंद्रकांतबाबान आमकां सगळ्यांक मडगांवां आपले गाडयेंत घाली आनी पणजे येवपाक लागले. सामक्या सहजपणान आनी खेळीमेळीच्या वातावरणांत तांणी आमच्या सगळ्यांच्या दैनिक 'सुनापरान्ता'च्या कामाची रुपरेशा जाहीर केली आनी म्हणलें, 'प्रकाशाक आमी, पणजे प्रतिनिधी करुंया!'.... हें तांचें उतर म्हजे पत्रकारितेचे वाटचालींतलें भांगराचें उतर अशें हांव कायम मानीत आयलां.

पणजे पत्रकार म्हणून कामाक लागले उपरांत तांचें खूबच मार्गदर्शन म्हाका जालां. प्रधानमंत्री राजीव गांधी काबोचेर पत्रकार परिशद घेवपाचे आसले. चंद्रकांतबाबान म्हाका वांगडा व्हेलो.बाटेर कितें म्हत्वाचे प्रस्न विचारतलो अशें विचारतनाच असल्या व्यक्तींचे पत्रकार परिशदेक वतना 'कशी' तयारी करची, भोंवतणी, व्हीआयपीच्या बॉडी लँग्वेजीचेर कशें लक्ष आसचें ह्यो गजाली सांगल्यो. परततना पत्रकार परिशदेंत हांवें प्रस्न विचारलो ताचें कवतुक करून तांणी 'प्रकाश, फाल्यां हेडलायन कितें' अशें विचारून म्हजी परिक्षाय घेवन उडयली.

पत्रकारीतेंतल्या निपक्षपातीपणाचेर ते सांगी. पत्रकार हो कॅमेरा कसो आसूंक फावो. ताणे प्रत्यक्ष पळयलां, घडलां तें बरोवप. ताचो भाश्य करपाचो अधिकार संपादक वा भाश्य करपाक लेख बरोवप्याचो. पत्रकाराचे 'ऑबजेक्टीसिटी' विशीं ते जागरूक आसलें.

सुनापरान्तांतले वातावरण खेळीमेळीचें. लोक नवे. सांजवेळा थंय गेलों जाल्यार पेपर येवपा पासत काम कशें गतीन जावचें हाचो हुस्को आशिल्ले चंद्रकांतबाब हे हाडाचे पत्रकार पळयल्यात. पूण ते दामोदर घाणेकाराच्या 'व्याकरण आनी शुद्धलेखन' अतिरेकाचेर वा प्रो. प्रो. प्रकाश थळयाच्या सतत चलपी 'विनोद आनी कोटी'चेर खेळीमेळीचे पद्दतीन 'फाल्यांचो पेपर येवपाक जाय' अशी चावी घुंवडावन कामाक गती दिवपाचे यत्न करी. केन्नाच कोणाक तापोवप वा दुखोवप हें तांणी केल्लें म्हाका याद जायना.

'सुनापरान्त' सुरू जाल्ले उपरांत 11 म्हयन्यांबी म्हाका 'दै नवहिंद टायम्सा' न प्रतिनिधी म्हणून आपयलो. चंद्रकांतबाबांक हांवें सांगलें, हांव वतां म्हणून. तांणी म्हाका तरेतरेचे पर्याय दिवन इंग्लिश दिसाळ्यांनी बरोवपाक, 'गोवा टुडें'त बरोवपाक वेवस्था करतां, परवानगी दितां म्हणून सांगलें, पूण जेन्ना हांवे फुडाराचें चिंतून वतां म्हणून सांगलें तेन्ना तांणी म्हाका व्हड अपुरबायेन आशिर्वाद दिवन निरोप दिलो. हांव फुडें इकॉनॉमिक टायम्सांत पावलों, **उपरांत 'हिंदू'**त. चंद्रकांतबाबांनी सदांच कवतुकाचो हात **फाटीर** दवरलो. 'हिंदू'त हांव पावलां हाचो तर तांकां **खूबच** अभिमान दिसलो अशें तांणी उलोवनय दाखयलें.

पत्रकार म्हणून चारित्र्यहनन केन्ना करूं नाकात अशें सदांच तांणी सांगलें. जाका परत जाप दिवपाची शक्त वा संद ना ताचे आड पेन आसा म्हणून बरोवचें न्हय हें तांणी सांगलें. पत्रकारिता ही संयमीत आसची. एका दिसान सनसनाटी करप शक्य आसा... पूण 'कन्सिस्टंसी' आनी 'क्रॅडीबिलिटी' ह्यो **पत्र**कारितेक तयार करपाक वेळ लागता आनी त्यो **सांबाळ**प खूब म्हत्वाचें अशेंय ते सांगी.

कोंकणीचो तळमळीन पुरस्कार करपी चंद्रकांतबाब **पत्रकार म्हणून** भोवभाशीक आसलो. ते नदरेन ते प्रेरणा दिवपी पत्रकार. आमच्या गोंयांत जायते पत्रकार आयुश्यभर एकेच भाशेंत पत्रकार म्हणून मर्यादीत उरतात, तातूंत तांच्या भविश्याचें लुकसाण जाता. तांणी चंद्रकांतबाबांची देख घेवपा सारकी.

पत्रकार कितलोय व्हड आसूं, तो मुळांत 'मनीसपण' आशिल्लो नासत जाल्यार म्हजे नदरेन ताच्या व्हडपणाक कसलेंच मोल ना. कारण पत्रकारिता ही निमाणें लोकां खातीर आसता. चंद्रकांतबाबांचे ठाय हें मनीसपण उपाटपणान हांवें अणभवलां. 'सुनापरान्ता'त आसतना म्हाका एक फावट कामार येतना अपघात जावन भुजाक मार बसलो. तेन्ना तांणी हांव हॉस्पिटलांत पावन उपचार घेवन घरा पाव मेरेन घेतिल्ली दखल, जेन्नाय केन्नाय घरच्या अडचणींक लागून कामाचो खोळंबो जाता तेन्ना दाखयिल्लें समजुतदारपण ह्यो गजाली वयर सरपी पत्रकाराचे नदरेन म्हत्वाच्यो आसतात. ताची फुडाराची मानवतावादी वृत्ती घडोवपाक तांचो मोलाचो आदार जाता. हांगा म्हाका 'नवहिंद टायम्सा'चे आदले संपादक स. एम.एम. मुदलियार हांचोय असोच अणभव आयलो हें नमूद करीन दिसता.

चंद्रकांतबाबाचे पत्रकारितेचो हो पूर्ण नियाळ न्हय. हांवें बरयलां तें खूबशें वैयक्तीक आनी देखून खूब मर्यादीत नदरेन हाची म्हाका जाणीव आसा. पूण हीं तांच्या एका पत्रकारितेंतल्या विद्यार्थ्यांचीं तांच्या पवित्र स्मृतीक आगीं.

राजभास प्रशासनांत चडांत चड वापरची म्हणून सरकाराचे सर्वपरी प्रयत्न

- सरकारी कर्मचाऱ्यांक राजभाशेंतल्यान पत्रवेव्हार करपाक प्रशिक्षण दिवपाची कार्यावळी.
- राज्य पावंड्या वयले कायदे राजभाशेंतल्यान प्रकाशीत करपाची येवजण.
- राजभाशेची अंमलबजावणी जावपा खातीर सर्वसमावेशक तज्ञ प्रतिनिधींचें सल्लागार मंडळ स्थापन.
- कोंकणी साहित्याक उर्जा दिवपा खातीर गोवा कोंकणी अकादमीक 55 लाखांचें अनुदान.
- मराठी साहित्याक प्रोत्साहन दिवपा खातीर गोमंतक मराठी अकादमीक 30 लाखांचें अनुदान.
- भाशीक उदरगती खातीर दाल्गादो कोंकणी अकादमीक 15 लाखांची मदत.

प्रस्तूत करपी

राजभाशा संचालनालय

गोंय सरकार,

5वी माळी, 1ली लिफ्ट, जुन्ता हावस, पणजी-गोंय

दुरभास क्र. 0832-2420071, 2420179

चंद्रकांत केणी हें कुवाडें सुटलेंच ना

भोवजन समाजाच्या हातांत हे भाशेचेंच न्हय तर पुराय चळवळीचें मुखेलपण दिवपाचें रुजवणूय चंद्रकांतबाबानूच राष्ट्रमतांतल्यान घाल्लें. तांच्या ह्याच कार्याक लागून एका तेंपार सारस्वत समाजाची मालमत्ता जाल्ली कोंकणी भास भोवजनाच्या म्हालवजार गोंयची राजभास आनी संविधानाचे आठवे अनुसुचींतली राष्ट्रभाशाय जाली. कोंकणीचो दिश्टावो जावन भोवजन समाजान कोंकणी आपली अस्मिताय म्हूण आपणायली तेन्ना घडये खर सारस्वतांक उस्तुरेंय गेल्लें आसत. पूण चंद्रकांतबाबाक गेलेंना. कोंकणी भौसाची जाली हीच तांचे खातीर खरी खोस आशिल्ली.

संदेश प्रभुदेसाय

चंद्रकांत केणी हें एक विचित्र रसायण. ही व्यक्ती म्हाका पुरायेन केन्नाच मानवली ना. अर्थांत, वैचारीक नदरेन. वैयक्ती पांवड्यार न्हय. तशी खंयचीच व्यक्ती कोणाकूच पुरायेन मानवना. तशेच चंद्रकांतबाब. पूण अश्यो खूब उण्यो व्यक्ती आसतात, जांचो मानवना तरीय तुमी आदर करतात, तांचे विशीं आपलेपण दिसता, तांचे विचारसरणी कडेन पुरायेन असहमत आसून लेगीत तुमकां ती व्यक्ती आपली कशी दिसता. ही व्यक्ती म्हणल्यार चंद्रकांतबाब.

तसो हांव वा म्हज्या वांगडाचे कोंकणी चळवळींतले तरणाटे चंद्रकांतबाबाकय केन्नाच मानवले नात. आमची विचारसरणी तांकां केन्ना मानवली ना. ताचेर आमचीं उक्तेपणान झगडींय जातालीं. तांकां जाय जाल्यार ते आमकां सहज कोनशाक मारपाक शकताले. तांची कार्यशक्त इतली आशिल्ली की ते आमकां नानपयत लेगीत करपाक शकताले. पूण तांणी तशें केलेंना. आमच्या वैचारीक मतभेदां सयत तांणी आमकां आपणायले. वेंगायले लेगीत. देखूनच जावंये, तांच्या सगळ्या गुणदोशांसयत, चंद्रकांतबाब आमकां आमचेच कशे दिसले.

म्हाका तांची पत्रकारिता व्हडलीशी भावलिना. आमची विद्यार्थी चळवळ मडगांवांत फुल्ली, फळ्ळी. तांचे इतले मिळमिळीत अग्रलेख तेन्ना हांवें कोणाचेच वाचले नात. नरो वा कुंजरो वा अशीच तांची भुमिका आसताली. सोडून कोंकणी चळवळींतले प्रस्न. थंय मात ते सडेतोड भुमिका घेताले. बाबू नायका कडेन पावतकच मोव जावपी चंद्रकांतबाबांची तर आमकां सगळ्यांकूच तिडक मारताली. तेच तिडकीन कितेंय बरयल्यार मात फकत राष्ट्रमतच छापतालो. तो आमचोच पेपर कसो आमकां दिसतालो. हाकाय चंद्रकांतबाबूच कारणीभूत. बाबू नायकाचेर तुटून पडपी विद्यार्थी चळवळीचेर तुटून पडप तांकां सहज शक्य आशिल्लें. पूण तांणी तशें केलें ना. उरफाटें, आमकां जमता तसो आदारूच केलो. कारण चंद्रकांत केणी हें रसायनूच वेगळें आशिल्लें.

मुद्देसूद आनी खंबीर पत्रकारिता कशी करची हें हांव चंद्रकांतबाबा परस सीताराम टेंगसे सरा कडल्यान चड शिकलों. टेंगसे सर खर मराठीवादी. चंद्रकांतबाब कोंकणीवादी. आज टेंगसे सर सांगतात - आमचे मदीं केन्नाच झगडीं जालीं नात. मतभेद जाले नात. आशिल्ले, पूण ते उक्ताडार आयले नात. वैचारीक मतभेद जावन लोकमान्य टिळक आनी गोपाळ गणेश आगरकर लेगीत वेगळे जाल्ले. केसरी सोडून आगरकरान सुधारक सुरू केल्लें. गोंयांतलो कोंकणी-मराठी वाद तर जिणेंतल्या सगळ्या गजालींनी आजूय तकली वयर काडटा. वचत थंय धोशी घालता. कितल्योश्योच वेगवेगळ्या विचारसणींच्यो

कथाकार, पत्रकार, संपादक, प्रकाशक
आनी कोंकणी चळवळीचो एक फुडारी
ह्या नात्यान केल्ले सेवे खातीर

स. चंद्रकांत केणी

हांच्या उगडासाक आमचें नमन

अस्मिताय प्रतिश्ठान

मडगांव, गोंय

के के पै केणीबाबांचो सत्कार करतना. सांगाता कवी मंगेश पाडगांवकार.

संघटना गोंयच्या इतिहासांत एका भाशावादान फोडल्यात. तरिकूय एका खर मराठीवाद्याक वेंगावन राष्ट्रमत चलोवपाचो पराक्रम फकत चंद्रकांतबाबूच करपाक शकतात. ताचे खातीर लागता ती परिपक्वता सुमराभायली हें तांचो खर दुस्मान लेगीत मान्य करीत. नारायण आठवले वा गोमंतकाचो खंयचोय संपादक तांचे मुखार आदरान मान बागयतालो तो हाकाच लागून.

एक चार पानांचें दिसाळें. तेंय गोंयचें म्हणचे परस मडगांवकारांचें चड. आमी विद्यार्थी आसतना ताचें फकाणांनी वर्णन करताले तें अशें - दरेक मडगांवकार सकाळीं उठ्ठा, बाजारांत वतना राष्ट्रमत घेता, कोण जालो-मेलो तें वाचता, मागीर नुस्त्या बाजारांत वता, नुस्तें घेवन तें राष्ट्रमतांत गुठलायता आनी बातम्यो कितें आसात तें पळोवया म्हणून खंयचो तरी एक पेपर विकतो घेवन घरा वता. पूण हीं निखटीं फकाणां. प्रत्यक्षांत आमचें मत राष्ट्रमतान घडयलें. देखूनच एक चार पानांच्या मडगांवच्या दिसाळ्याचो संपादक निवृत्त जायसर एडिटर्स गिल्डाचो सदांकाळ अध्यक्ष उरलो. तांकां हो सन्मान दिल्लो गोंयच्या सगळ्या चड खपाच्या दिसाळ्यांच्या संपादकांनी. मागीर जावं ते इंग्लिश पेपर वा मराठी. चंद्रकांतबाबाची विद्वत्ता, तांची पत्रकारितेंतली व्रतस्थ भुमिका आनी सगळ्यां कडेन जुळोवन घेवपाची तांची कळाशी हाकाच लागून ते अध्यक्ष उरताले. एके तरेन हेर सगळे संपादक तांकां हें अध्यक्षपद दितना आपली कमजोरीच मान्य करताले.

चंद्रकांतबाब हें म्हजे खातीर आजूय एक कुवाडेंच उरलां. वृत्तपत्र ही संकल्पना तोडून तंत्रज्ञानाच्या आदाराचेर प्रसार माध्यमां ही संकल्पना रुजपाक लागल्या हो विचार सातत्यान मांडपी व्यक्ती म्हणल्यार चंद्रकांतबाब. ऑडियो सीडी, टीव्ही चॅनल, इंटरनॅट अश्या माध्यमांतल्यान कोंकणीचो प्रसार जावंक जाय आनी ती संवसारभर पावपाक जाय असो विचार सातत्यान मांडपी व्यक्ती म्हणल्यार चंद्रकांतबाब. पूण सुनापरान्त मडगांवच्यान पणजे व्हरया आनी चार पानांचें 10 पानां करया हे संकल्पनेक तांचो पुराय तेंको नासलो. तांणी तो फकत मानून घेतिल्लो. गोंयचीं सगळीं दिसाळीं 12 पानां हुपून गेल्लीं तरिकूय उण्याच 10 पानांच्या दिसाळ्याक तांचो आक्षेप कित्याक आशिल्लो हेंच म्हाका समजना आशिल्लें. ल्हवू ल्हवू करून फाल्यां केन्ना तरी करया अशी तांची मिळमिळीत भुमिका आशिल्ली. पूण जेन्ना तें 10 पानांचें आयलें तेन्ना मात तोंड भरून कवतूक ह्याच मनशान केलें. कोंकणी चळवळ फकत धाडस, आत्मविस्वास आनी लोकचळवळीच्या म्हालवजार येसस्वी जाली. सुनापरान्ता विशीं भुमिका घेतना मात तांचें हें धाडस, आत्मविस्वास आनी लोकचळवळी विशींचो विस्वास खंय पेंड खातालो तें म्हाका केन्नाच कळ्ळेंना.

गोंयकाराची वृत्ती कुल्लेवरी. वयर सरतल्याक सकयल ओडपी ही देख सदांच दिवपी चंद्रकांतबाब. पूण ते स्वताच कांय वेळार कुल्लेवरी कित्याक वागताले तेंय कळ्ळेंना. आमी तेन्ना विद्यार्थी दशेंत. इल्ले चडूच बेधडक. आमी तांकां हें विचारिल्लें लेगीत. ताचेर तांची जाप व्हडलीशी समादानकारक नाशिल्ली. देखून ती आज याद लेगीत जायना.

गोवा युवा महोत्सवांत एक फावट हावें तांची मुलाखत घेतिल्ली. तेन्ना एका उतरांत जाप दिवपी कांय प्रस्न तांकां विचारिल्ले. तातूंतलो एक आशिल्लो - पर्तगाळचो मठ व्हड काय कोंकणीचें पीठ व्हड. तांणी लांबलचक जाप दिवपाचो यत्न केलो. हांवें सांगलें - फकत जाप सांगात. विस्कटावणी नाका. तांणी फट्ट करून सांगलें - कोंकणीचें पीठ. ताळयांचो कडकड जालो. पूण म्हाका अजूनय प्रस्न पडटा. जर हो प्रस्न तांकां पर्तगाळच्या मठांत वा सारस्वत संमेलनांत विचारिल्लो जाल्यार ते कितें सांगपाचे? अचूक हांगांच चंद्रकांतबाबांचें कुवाडें म्हाका निमाणें मेरेन सुटलेंना.

कोंकणी आमची अस्मिताय आसली तरी हिंदी ही आमची राष्ट्रभाशा आनी भारत हो आमचो देस ही संकल्पना आमचे मुखार सातत्यान मांडून आमकां राष्ट्रीयत्वाची जाणविकाय करून दिवपी व्यक्ती म्हणल्यार चंद्रकांतबाब. पूण तीच व्यक्ती जात-धर्माचीं बंदनां तोडून सगळी मनीसजात एक जावंक जाय म्हणीत सारस्वत संमेलनांनी घुस्पताली तेन्ना म्हाका अजाप दिसतालें. हातूंतलो खंयचो चंद्रकांतबाब खरो? राष्ट्रभाशेचो पुरस्कार करीत पुराय मनीसजातीक एकठांय करपाचो उलो मारपी चंद्रकांतबाब, काय एका वर्गसंघर्शाचें जातीय पांवड्यार वचून उच्चवर्णियांचें मुखेलपण करपी सारस्वत समाजाचें समर्थन करपी चंद्रकांतबाब? हें एक कुवाडेंच.

सारस्वत समाजाचें समर्थन करताले म्हूण तांकां दांभीक म्हणपूय चुकी चें. कारण तांणी तांची सारस्वती निश्ठा केन्नाच लिपोवन दवरली ना. दाखय-लिपय केलेंना. दुसरें म्हणल्यार तांचें वागणें एका जात्यांध सारस्वताचें केन्नाच नासलें. कोंकणी शेतांतलें दरेक भांगर तांणी पारखिल्लें. थंय जात-धर्म केन्नाच पळयलो ना. उरफाटें, भोवजन समाजांतल्या सर्जनशील लेखकांक राष्ट्रमतांतल्यान माची दिवन कोंकणीचो आवाठ वाडोवपी चंद्रकांतबाबूच.

तसो कोंकणी चळवळीक जात-धर्म लागच ना. लागलो जाल्यार कोंकणी चळवळ तिगचीच ना. कारण कोंकणी ही तळागाळांतल्या लोकांची तोंडावेली संवकळीची भास. भोवजन समाजाक वाचूंक-बरोवंक कळनाशिल्ली आनी फकत सारस्वतांक वाचूंक-बरोवंक येताली ती मराठी भास. पूण तरिकूय ती मराठी आमची न्हय, तर भोवजन समाजाची भास तीच आपली भास अशें म्हणटल्याक आमी कितें म्हणप? सारस्वत बामण काय सरस्वतीचे पूत-धुवो? एका तेंपार सारस्वतांनी कोंकणी चळवळीचें मुखेलपण करून ती भास आपली खाजगी मालमत्ता केल्ली हेंय मात तितलेंच खरें. पूण ती परिस्थिती बदलून भोवजन समाजाच्या हातांत हे भाशेचेंच न्हय तर पुराय चळवळीचें मुखेलपण दिवपाचें रुजवणूय चंद्रकांतबाबानूच राष्ट्रमतांतल्यान घाल्लें. तांच्या ह्याच कार्याक लागून एका तेंपार सारस्वत समाजाची मालमत्ता जाल्ली कोंकणी भास भोवजनाच्या म्हालवजार गोंयची राजभास आनी संविधानाचे आठवे अनुसुचींतली राष्ट्रभाशाय जाली. कोंकणीचो दिश्टावो जावन भोवजन समाजान कोंकणी आपली अस्मिताय म्हूण आपणायली तेन्ना घडये खर सारस्वतांक उस्तुरेंय गेल्लें आसत. पूण चंद्रकांतबाबाक गेलेंना. कोंकणी भौसाची जाली हीच तांचे खातीर खरी खोस आशिल्ली. म्हाका निखालस मान्य नाशिल्ले बामणी वृत्तीच्या सारस्वत समाजांतलो हो सारस्वत मात आगळोच. आयज लेगीत एक कुवाडेंच कशें.

स. चंद्रकांतबाब केणी हांचे यादीक
आमचें मना काळजा सावन नमन

YATRIK TRAVELS

MARGAO
Baboy Commerce Centre,
Near Hari Mandir,
Tel: 2734968/2713455

PANAJI
S-5, Fatima Chambers,
Dr. A. B. Road,
Tel: 3225097

Email: yatrik_travels@rediffmail.com • **Website:** www.yatriktravels.com



व्यासंगी पत्रकार, संघटक, साहित्यीक
आनी कोंकणी चळवळींतले म्हालगडे
स. चंद्रकांतबाब केणी
हांचे यादीक आमचें नमन

भाई नायक, विनय नायक
आनी घरचीं
मडगांव-गोंय

चंद्रकांतबाब: एक खांपो पत्रकार-मुत्सद्दी

कोंकणी भाशा मंडळाचो बुन्यादी वावर करपा पसून, मराठीवादाक राष्ट्रमतांतल्यान मराठींतल्यानूच जाप दिवपा मेरेन ते गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावपा आडच्या सभांनी भाशणां करपा मेरेन ह्या खांप्या गोंयकारान वावर केला. तेच बाराबर राष्ट्रमताचें येरें खंबीरपणान सांबाळ्लां. एकाच वेळार दोन वेगळ्या भाशांतल्या पेपरांचो एकूच संपादक आशिल्लो. ते म्हणल्यार चंद्रकांतबाब. एका मनशान एकाच वेळार हें इतलें आनी इतल्या तरांचें काम केलां म्हणल्यार जांणी (आमी) तांकां पळयल्यात, वळखल्यात तांकां खरें दिसना. तें फुडल्या पिळग्यांक एक अपरूपूच दिसतलें.

दामोदर घाणेकार

कोंकणी गोंयची राजभास चार फेब्रुवारी, 1987 ह्या दिसा जाली. कोंकणी भाशेक राजमान्यताय मेळोवन दिवपाक 555 दिसांचें जें आंदोलन जालें तातूंत जायत्या जाणां मदीं हांवें म्हजे कुवती प्रमाणें योगदान दिल्लें. त्याच वेळार पणजेचे अभियंते दत्ता श्रीपाद नायक (दत्ताभाई) हे 'सौंगडी' नांवाचें म्हयनाळें चलयताले. हांव ताचो संपादक आसलों.

आंदोलन काळांत कोंकणी'वाद्या' कडेन जें एकूच 'शस्त्र' आसलें तें हेंच सौंगडी. गोमन्तकांत येवपी मुद्दे खोडून काडून, आमी (म्हणल्यार कोंकणी लेखक) तांच्यो तिस्त्यो-वाद्न्यो करताले. म्हजो एक ल्हानसो अग्रलेख आसतालो. हांव एक स्तंभूय बरयतालों. केन्ना केन्ना अग्रलेख दत्ताभाईय बरयतालो.

आंदोलन तेंगशेर पावत आयिल्लें आसतना एक दीस चंद्रकांतबाब केणयाचो दत्ताभाईक फोन आयलो. तांणी म्हजे भयणीगेर फोन करून (म्हगेर नासलो म्हणून) म्हाका आपोवन घेतलो. 'आरे, तुका चंद्रकांतबाबान फोन कर म्हणलां. घे, आतांच कर,' दत्ताभाईन सांगलें. सोमतो फोन केलो. 'मातसो मडगांवां येवन मेळशी?' सदांच्याच मवाळ आनी आपलेपण दाखोवपी आवाजान चंद्रकांतबाबान विचारलें, 'येतां फाल्यांच', हांवें म्हणलें.

मडगांवां राष्ट्रमताचे कचेरेंत चंद्रकांतबाबान सांगलें, 'राजबाब साळगांवकार कोंकणी दिसाळें सुरू करूंक सोदता. येता मरे?' म्हाका कितें जालेंच सामकें, आनी हो येता काय म्हणून विचारता! हयकार दिवन हांव परतलों. भितरल्यान एक नवें चैतन्य, नवी उर्बा, उसळून आयली. कोंकणींत आनीक दिसाळें? जावं सायबा, एकदांचें येता! कारण, मराठीवाद्यांचो तोच तोच फुटको धोल आयकून गोंयकारांचे कान किटिल्ले.

डिसेंबराच्या अदमासाक प्रशिक्षण सुरू जालें. राष्ट्रमताचे पोरणे (बड्डेंचे) कचेरेंत आमी स जाणां अणकार करप, खबरांक माथाळे दिवप, असलें बी तंत्र चंद्रकांतबाबाच्या मार्गदर्शना खाला (अर्द दीस) शिकलीं. खंयच्याय खबरेपत्राक जशे 'डॅस्का'र काम करपी उपसंपादक जाय आसतात तशेच खबरेकारूय जाय आसतात. नाजाल्यार थळाव्यो खबरो कोण हाडटलो? ते खातीर, तांणी म्हाका पणजेचो 'रिपोर्टर' नेमपाचें थारायलें आनी म्हाका सांगलें, 'ल्हान ल्हान घडणुकांच्यो खबरो पणजेच्यान धाडीत राव. तूं कोंकणींत धाड. आमी त्यो मराठी करून राष्ट्रमतांत छापतले. तुका अणभव मेळटलो आनी आमकां खबरो.' ते नदरेन हांवें वावर सुरू केलो. 'घाणेकार, आज अमके कडेन अमकें आसा रेय. ताचो एक रिपोर्ट धाड,' चंद्रकांतबाबाची भायर सरतना म्हाका मोगाळ सुचोवणी म्हणल्यार आदेशूच तो. एक दीस

मुख्यमंत्री दिगंबर कामत हांचे हस्तुकीं जाल्लो भोवमान.

म्हाका मंगेशीं वच्चें अशें सुचयलें. थंय एक विराट संमेलन भरिल्लें. स. पांडुरंगशास्त्री आठवले ह्या स्वाध्याय पंथाच्या प्रणेत्याक पयले आनी निमाणे खेपे प्रत्यक्ष सामको लागींच्यान पळयलो आनी तांचे कडेन उलयलों तो त्याच दिसा. उपरांत, तांच्यो जायत्यो विडियो कॅसेटी पळयल्यात. पूण चंद्रकांतबाबान त्या दिसा मंगेशीं वच म्हणून सांगूंक नासलें जाल्यार ती भेट केन्ना घडची नासली. त्या मानान हांव सुभागी. ती खबर हेर (म्हज्या) खबरां मदीं राष्ट्रमतार छापून आयली. आज तो इतिहास जाला.

कोंकणी राजभास आंदोलन चालूच आसलें. असल्या वेळार सुनापरान्ताची 25 व्या स्वातंत्र्य दिसाची पुरवणी आयली ती आमकां मेळपाक (रस्ते बंद आशिल्ल्यान) तीन-चार दीस लागले. पेपर पळोवन बरेच लोक (चड करून मराठीवादी) झोंझ जाले. उपरांत माचांत एक दुसरो 'कर्टन रेझर' (पडो उकतो जावचे आदीं) भायर येवपाचो जालो. चंद्रकांतबाबान आपले (राष्ट्रमताचे) कचेरेक म्हाका खर्चाक पयशे दिवंक लावन स्वाम्याच्या मठाक आपल्या हातान बरोवन एक चीट दिली. हरशीं चंद्रकांतबाब 'डिक्टेशन' दिवपी. पूण ही चीट तांणी स्वता बरयिल्ली. 'मुंबय वच. दादर टिटी देंव. टॅक्सीन वडाळ्याक स्वाम्याच्या मठांत उतर. थंयच्यान दोन मिणटांचेर पेपर कम्पोझ जाता. थंय सुरेश (काकोडकार) आसा. सगलें समजून घे, अशी सुचोवणी दिवन म्हाका मुंबय धाडलो. थंय पयलेच खेपे, 'आमचो' पेपर कशे तरेन छापतले तीं सगलीं म्हणल्यार बातमी बरोवपा पसून, कम्पोझ करून ताची ब्रोमायड (फोटोकम्पोझ- हें तंत्र आतां काळाभायरें जालां) काडून, फिल्म, प्लेट तयार जावपा मेरेनचें तंत्रगिन्यान पळोवंक मेळ्ळें. तो फकत एक ल्हान छापखानो आसलो. पेपराची छापणावळ थंय जायनासली. ते पुरवणेक एक चीट उणी पडूंक लागली. रोखडीच कोयराचेर एक चीट बरोवन दिली. तो मराठी कम्पोझिटर म्हाका कोयर आनी बल्ल ह्या उतरांचो अर्थ विचारूंक लागलो. म्हाका आनी सुरेशबाबाक मातशें हांसूंक आयलें.

फाल्यांचो पेपर कसो येतलो, हेडलायन कितें आसतली, खंय डब्लर (दोन कॉलम), खंय ट्रिब्लर (तीन कॉलम), बी सगलें तांचे तकलेंत चित्र कशें आसतालें. 'आरे, डब्लरूच दीत रावं नाकातआं. मदीं-मदीं भरपाक सिङ्लूय (एकोड्यो) खबरो जाय पडटल्यो, अशें वता आसतना सदांच सांगचें. 'रातची गरज पडल्यार म्हाका खंयच्याय वेळार फोन करआं.' तांचें रातपाळयेच्या मनशाक धीर दिवपी मायेचें सांगणें. हाचो अर्थ हांव समजलां तो असो: गरज पडलीच जाल्यार म्हाका आपय; हांव रोखडोच येतां. खंयचोय वरिश्ठ संपादक आपल्या मुखेल उपसंपादकाक अशें मोगान सांगीत अशें म्हाका तरी दिसना.

केन्नाकेन्नाय तांचो फोन येवप, आरे हेडलायन कितें? अमकी म्हणून सांगतकच, अमको दृश्टीकोन घेवपाक विसरनाका रेय. आनी प्रधानमंत्री रशियेक वता ती खबर वयर घेआं.' सगलोच पेपर दोळ्यां मुखार. कांय मेंदवांत?

खूब खेपे, चड करून आयताराचे पुरवणेचे ब्रोमायड कापून वेवस्थीत चिकटायतना तांकां हांवें पळयल्यात. तें काम खरें म्हणल्यार पेस्टरांचें. पूण चंद्रकांतबाबाक तें करपाक एक वेगळीच उमेद येताली, आनी पत्रकारितेच्या तशेंच ह्याय तंत्रांत आपूण फिशाल आसां हें ते सहज दाखोवन दिताले. चंद्रकांतबाब करी तें काम ताचे फाटलें तंत्र समजून घेवन करताले. एक दीस आयतारा सकाळीं (सदां भशेन) पणजे येतलों हें जाणा जावन तांणी म्हाका कचेरेंत येवन राव अशें सांगलें. गाडयेंत आमी दोगूच. ते चलयताले. हांव मोन्यांनी बशिल्लों. मदीं-मदीं कोंकणी, गोंय विलिनीकरण, मराठीवाद, राजकारण, बी विशयांचेर गजाली सांगी. मदींच, एक वाहन आडवें आयलें काय कितें जालें आनी 'ब्रेक मारचो' पडलो. पूण ब्रेक मारचे बदला ह्या तज्ञ चालकान गाडयेचें गियर बदल्लें. 'लोक ओगीच ब्रेक मारतात,' तांणी स्पश्ट करीत म्हणलें. 'ब्रेकार गाडी घुंवता. गियर बदलूंक जाय. पळयआं.' अशें म्हणीत गाडयेचो वेग मातसो वाडोवन परतून एकदां मदींच गियर बदलून ती थांबयली. हांवें अशें करून गाडी थांबयतना कोणाक केन्नाच पळोवंक ना. उपरांत हांवें लिसेंस काडलें तेन्नाय म्हाका कोणें हें तंत्र शिकोवंक ना. चंद्रकांतबाबालें विचार 'चक्र' असामान्य हें मान्य करुंकूच जाय!

हाचोच अर्थ, गरज पडटा तेन्ना मनशान आपली हालचाल (गियर) बदलपाक जाणा जावंक जाय. ब्रेक मारल्यार गाडी थांबता खरी, पूण ती घुंवताय बी. गियर बदलीत जाल्यार अचळय वेगळी दिशा मेळटा हें खरें.

कोंकणी भाशा मंडळाचो बुन्यादी वावर करपा पसून, मराठीवादाक राष्ट्रमतांतल्यान मराठींतल्यानूच जाप दिवपा मेरेन ते गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावपा आडच्या सभांनी भाशणां करपा मेरेन ह्या खांप्या गोंयकारान वावर केला. तेच बाराबर राष्ट्रमताचें येरें खंबीरपणान सांबाळ्ळां. एकाच वेळार दोन वेगळ्या भाशांतल्या पेपरांचो एकूच संपादक आशिल्लो. ते म्हणल्यार चंद्रकांतबाब. एका मनशान एकाच वेळार हें इतलें आनी इतल्या तरांचें काम केलां म्हणल्यार जांणी (आमी) तांकां पळयल्यात, वळखल्यात तांकां खरें दिसना. तें फुडल्या पिळग्यांक एक अपरुपूच दिसतलें.

घरकान्न विनोदिनी आनी ध्रुवो उर्विजा आनी प्रज्ञा हांच्या सांगाता.

खूब खेपे फाटल्यो यादी काडटना चंद्रकांतबाब तेन्ना जें घडिल्लें ताची झलक दिताले. 'जाणा मरे, बांदोडकार केन्नाय आमकां जेवपाक आपयतालो. उदय (उदयबाब भेंब्रे) आनी हांव तागेर वचून जेवल्यात. जेवणार राजकारण ना. भायर मागीर आमी एकामेकाक (मराठीवादी-कोंकणीवादी) गाळी मारी. पूण बांदोडकार आमचो इश्ट आशिल्लो'. असले तरेचें 'पुलितीक' चंद्रकांतबाबाक बेस बरें जमतालें. दुस्मानाच्या खांदार हात घालून ताका वश कसो करपाचो हें 'हाव टू इन्फ्लुयॅन्स पिपल ॲण्ड मेक फ्रॅण्डस' हें पुस्तक वाचिनासतना चंद्रकांतबाब करताले आनी तें करपांत ते खऱ्यांनीच फिशाल आसले म्हणल्यार मात्तूय लटीक जावचें ना!

'घाणेकार, केन्नाय अग्रलेख बी बरोवंक लाग,' चंद्रकांतबाबाची आनीक एक मोगाळ सुचोवणी. म्हजो पणजी-मडगांव प्रवास आनी सदांच रातपाळी हांकां लागून तें केन्ना घडून येवंक पावलेंना. पूण, तांचेच सुचोवणेक लागून आयताराचो मात एक समाजीक-राजकी असो स्तंभ हांव बरोवंक पावलों.

म्हजें खबरांचेर बारीक लक्ष आसतालें आनी त्यो हांव मोटे रुचीन करतालों हें तांणी तेळिल्लें. धपक्यांत कसलीय गजाल तांच्या लक्षांत येवन ताचें विश्लेशणूय तितलेच गतीन तांचे कडल्यान जातालें. 'जाणा मरे, आमचो घाणेकार परफॅक्शनिस्ट,' ते केन्नाय कोणाकूय म्हजी वळख सांगी. कारण हांव बारीक-बारीक गजालींचेर लक्ष दितालों, अक्षरान अक्षर तपासतालों हें तांचे चाणाक्ष नदरेंतल्यान सुटूंक नासलें. 'आरे, चड घेवन बसूं नाका तें.' पेपर फाल्यां रद्दी जातलो हें तांकां खबर आसलें. म्हाका खबर नासलें अशें न्हय, पूण हांव म्हज्या सभावा प्रमाणें वागतालों. अजुनूय बदलूंक ना.

एक दीस अग्रलेख ब्रोमायडाचेर येतकच ताच्यो चार वळी चड जातात अशें पेस्टराक समजलें. तो म्हजे सरेन येवन म्हणूं लागलो, 'चार वळी चड जातात, निमाण्यो चार कापूं?' 'पापया अग्रलेखांतल्यो अखेरच्यो चार वळी म्हणचे ताचो आत्मो आनी तोच तूं कापता?' फोन करतकच चंद्रकांतबाबान सगलो अग्रलेख वाच आनी जमता थंय कातर लाय अशी म्हाका परवानगी दिली. ते प्रमाणें चार गरजे भायल्यो वळी 'कापून' ब्रोमायड परत दिली.

कोणाकूय कितेंय सांगचें आसल्यार तें तोंडार सांगिनासले. 'आरे, दनपारच्या वेळार कचेरेचीं दारां बंद करून उलोवप सारकें दिसना. अमक्याक सांग मातशें,' तांची सुचोवणी. ते प्रमाणें हांवें ही सुचोवणी म्हज्या कनिश्ठ सहकाऱ्यांक कळीत केली.

कोण मनीस कितलें काम कितले दक्षतायेन, तत्परतायेन करता हें तांकां ज्युस्त खबर आसलें. एक दीस काम सोंपोवन कम्पोझ जाता म्हणसर हांव मेजार तकली तेंकोवन आड पडिल्लों. बरी रात जाल्ली आसतली. चंद्रकांतबाब कसली तरी खबर दिवपाक घरकान्नी सयत भितर सरले. ती बरोवन सोंपतनाच म्हाका आवाजान जाग आयली. मुखार पळयल्यार चंद्रकांतबाब. 'न्हीद रे तूं. ही इल्लीशी खबर दी.' तांणी माथाळो दिवन सोंपयत ती म्हजे सुवादीन केली. काम जाल्लें खरें, पूण डॅस्कार न्हिदप ही लजेची गजाल अशें दिसून म्हाका मनाक खालें.

अखेरेक, हांवें माथाळ्यांत चंद्रकांतबाबाक राजकारणी कित्याक म्हणलां तें सांगूंक जाय. दोन पक्षांचो (राजकी न्हय) जर कसलोय वाद आसा आनी ते वेगळेवेगळे तांची बुद्द घेवपाक गेले जाल्यार दोगांकूय दुसऱ्याचेर मात करपाची बुद्द ते दिताले. हाकाच हांव 'राजकारण' म्हणटां. पूण मजा म्हणल्यार कोणाक लुकसाण जायनासतना दोनूय पक्ष समाधानी आसताले. अशे आशिल्ले चंद्रकांतबाब. धूर्त, चाणाक्ष, हुशार, कुशाग्र आनी फीन!

Committed to Community

VASANTRAO DEMPO
HIGHER SECONDARY SCHOOL
OF ARTS & SCIENCE

DHEMPE COLLEGE OF
ARTS & SCIENCE
NAAC Accredited B+ Grade

VOICUNTRAO SINAI DEMPO
HIGHER SECONDARY SCHOOL
OF COMMERCE

SRINIVASA SINAI DEMPO COLLEGE
OF COMMERCE AND ECONOMICS
NAAC Accredited B Grade

The Dempo Charities Trust has provided yeoman service to the Goan community in educational, social and cultural fields, always supporting individuals and institutions associated with the arts, culture, sports and especially education.

The Trust manages four educational institutions with state-of-the-art infrastructure: The Dhempe College of Arts and Science, the Srinivasa Sinai Dempo College of Commerce & Economics, the Vasantrao Dempo Higher Secondary School of Arts & Science, the Voicuntrao Sinai Dempo Higher Secondary School of Commerce.

Prominent Activities of the Trust

* Annual scholarships and financial assistance to needy and deserving students from different parts of Goa as well as outside Goa as also to various educational, socio-cultural and religious institutions.
* Fellowship to provide non-University institutional assistance to Goan Scholars undertaking research in subjects related to Goa's culture, arts, society, biodiversity etc.
* Support and promotion of cultural activities like music, theatre and festivals promoting Goan traditions.
* Support to Seminars, Workshops, Conferences, Training Camps conducted by Goa University and other professional bodies
* Memorial Lecture Series to commemorate the memory of the illustrious son of Goa - Late Shri Vasudeva V. Sinai Dempo.

DEMPO GROUP

DEMPO CHARITIES TRUST

Dempo House, Campal, Panaji Goa-403 001, India

Tel: 91 - 832 - 2226281 - 86 **Fax**: 91-832- 2427192 / 2225098 / 2228588

R.N.I.No. 43902/87 Reg. No. G-2/RNP/GOA-80/2007-09

आर्गां

मुक्त गोंयची समाजीक, सांस्कृतीक आनी अर्थीक जीण
गिरेस्त आनी संपन्न जावची,
गोंय आनी गोंयकार आत्मनिर्भर आनी किर्तीवंत जावचें
आनी गोंयची नामना संवसारांत परजळची
हे खातीर आपल्या अणभवाक, जाणविकायेक आनी विद्वत्तेक कसाक लावपी

स. चंद्रकांत केणी

हांचे ७५वे जयंती निमतान
गोंयकारांचे वतीन तांकां नमळायेचीं आर्गां

म्हायती आनी प्रसिद्धी खातें
गोंय सरकार